सत्यमेव जयते

# जैवीक विविधताय अधिनियम, २००२
# आनी
# जैवीक विविधताय नियम, २००४

राष्ट्रीय जैवविविधताय प्राधिकरण, भारत

सत्यमेव जयते

# जैवीक विविधताय अधिनियम, २००२
# आनी
# जैवीक विविधताय नियम, २००४

## राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरण
## भारत

© राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण, २००४

ह्या प्रकाशनांत भारत सरकारान चालीक लायिल्ले जैविक विविधताय अधिनियम, २००२ आनी जैवीक विविधताय नियम, २००४ आस्पावल्यात. देखून राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाची खाशेली परवानगी घेनासताना, खंयच्याय शिक्षणीक आनी बिगर-वेवसायीक उद्देशांखातीर ह्या दस्तावेजाचें पुनर्मुद्रण करूंक मेकळीक आसा. हे पुस्तिकेचो संदर्भ-स्त्रोत म्हण उपेग करपी प्रकाशनाची एक प्रत प्राप्त जाली जाल्यार ह्या प्राधिकरणाक आगळी खोशी जातली.

संदर्भ-वळेरेंत तशेंच संदर्भाचे नदरेन हे पुस्तिकेचो ‘जैवीक विविधताय अधिनियम,२००२ आनी जैवीक विविधताय नियम, २००४, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण (२००४), पानां ७४ असो करचो.

*अणकार*

**प्रा. भूषण भावे**

*चडावत माहितीखातीर संपर्कः*

सचिव
**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण**
५ वो माळो, टीआयसीइएल् बायोपार्क,
तारामणी मार्ग, तारामणी
चेन्नय - ६००११३
टेली ः ०४४ २२५४२७७७
फॅक्स ः ०४४ २२५४१२००
ईमेल ः secretary@nbaindia.in
वेबसायट.www.nbaindia.org

*अक्षर जुळवणी* ः **भवानी मुद्रण, उज्वला उ. नाईक,**
मो. ९८९२५२४१६७, ९६०४२५८४२१

*छापपी* ः

# विशाय-वळेरी



| अनु. क्र. | विशय | पान क्रमांक |
|---|---|---|
| १.. | जैवीक विविधताय अधिनियम, २००२ | |
| | पाठ १ - प्राथमिक | २ |
| | पाठ २ - | ४ |
| | पाठ ३ - राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण | ७ |
| | पाठ ४ - राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाची कार्यां आनी अधिकार | १३ |
| | पाठ ५ - राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाची मान्यताय | १४ |
| | पाठ ६ - राज्य जैवीक विविधताय मंडळ | १७ |
| | पाठ ७ - राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचें वित्त-सहाय्य, लेखा आनी लेखा-परिक्षण | २० |
| | पाठ ८ - राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचें वित्त-सहाय्य, लेखा आनी लेखा-परिक्षण | २२ |
| | पाठ ९ - केंद्र आनी राज्य सरकारचीं कर्तव्यां | २४ |
| | पाठ १० - जैवीक विविधताय वेवस्थापन समित्यो | २७ |
| | पाठ ११ - थळावो जैवीक विविधताय निधी | २८ |
| | पाठ १२ - हेर | ३० |
| २. | जैवीक विविधताय नियम, २००४ | ४० |
| ३. | फॉर्म - १ (नियम १४) | ५९ |
| ४. | फॉर्म - २ (नियम १७) | ६२ |
| ५. | फॉर्म - ३ (नियम १८) | ६४ |
| ६. | फॉर्म - ४ (नियम १९) | ६६ |
| ७. | फॉर्म - ५ (नियम २३(१)) | ६८ |
| ८. | फॉर्म - ६ (नियम २३(६)) | ७१ |
| ९. | फॉर्म - ७ (नियम २४(१)) | ७३ |

सत्यमेव जयते

# भारताचें राजपत्र

**असाधारण**

**भाग II- खंड १**

**प्राधिकारावरवीं प्रकाशीत**

नवी दिल्ली, बुधवार, ५ फेब्रुवारी, २००३ माघ १६,१९२४

वेगळें संकलन कशें फायल करूंक मेळचें म्हण ह्या भागाक स्वतंत्र पृष्ठ-क्रमांक दिल्यात


## विधी आनी न्याय मंत्रालय

**(विधीविभाग)**

*नवी दिल्ली, ५ फेब्रुवारी, २००३/माघ १६,१९२४ (शके).*

संसदेच्या सकयल दिल्ल्या अधिनियमाक (कायद्याक) राष्ट्रपतींची ५ फेब्रुवारी,२००३ दिसा संमती प्राप्त जाल्या आनी सर्वसामान्य माहितीखातीर तो हांगा उजवाडायला

# जैवीक विविधताय अधिनियम, २००२

## २००३ चो क्र. १८

*(५ फेब्रुवारी,२००३)*

जैवीक विंगडतायेचें संवर्धन, तिच्या घटकांचो स्वयंपोशक उपेग आनी जैवीक संसाधनां, गिन्यान हांच्या वापराक लागून जाल्ल्या लाबांचें न्याय्य आनी समभाग विभाजन तशेंच ते संबंदीच्या वा अनुशंगीक बाबीं खातीर प्रस्तूत अधिनियम (कायदो केला.

ज्याअर्थी भारत हो जैवीक विविधताय आनी ताचे कडेन संबंदीत परंपरीक आनी समकालीन ज्ञान-प्रणाली हांचे बाबतीत गिरेस्त संपन्न आसा;

**आनी ज्याअर्थी** रिओ द जनेरो हांगा ५ जून, १९९२ दिसा, जैवीक विविधताये विशींच्या संयुक्त राष्ट्र संघ कराराचेर निशाणी केल्लो भारत एक घटक पक्ष आसा;

**आनी ज्याअर्थी** सदर करार २९ डिसेंबर,१९९३ सावन अंमलात आयला; आनी ज्याअर्थी सदर करार जैवीक संसाधनांविशीं राष्ट्रांचे सार्वभौमत्वाचे आदिकार पुनर्निश्चीत करतात;

**आनी ज्याअर्थी** सदर कराराचो मुखेल उद्देश,जैवीक विविधतायेचें संरक्षण, ताच्या घटकांचो स्वयंपोशक उपेग आनी जनुकी संसाधनांच्या विनियोगाक लागून जावपी लाबांचें न्याय्य आनी समभाग पद्धतीन विभाजन, हो जावन आसा;

**आनी ज्याअर्थी** संरक्षण, स्वयंपोशक उपेग आनी जानुकी संसाधनांच्या वापराक लागून जावपी लाबांचे समभाग विभाजन तशेंच प्रस्तूत कराराची अंमलबजावणी गरजेची मानल्या;

भारतीय गणराज्याच्या त्रेपन्नाव्या वर्साचे संसदेत सकयल दिल्ले प्रमाण अधिनियमीत करतातः

# पाठ १

# प्राथमिक

**(थोडेभितर, माथाळो, मर्यादा आनी प्रारंभ)**

**१.** (१) ह्या अधिनियमाक जैवीक विविधताय अधिनियम, २००२ अशें म्हणूं येत.

(२) हो अधिनियम पुराय देशभर लागू जाता.

(३) केंद्र सरकारान राजपत्रावरवीं जाहीर केल्ले तारखेक हो अधिनियम अंमलात येतलोः

परंतू ह्या अधिनियमातल्या विंगड तरतुदींचे अंमलबजावणे खातीर वेगळ्यो वेगळ्यो तारखे निश्चीत करूं येतात आनी ह्या अधिनियमाचे अंमलबजावणेची तारीख ही ते तरतूदीचे अंमलबजावणेचो संदर्भ मानतलें.

**व्याख्या**

**२.** ह्या अधिनियमांत, जोंवेर संदर्भा प्रमाण हेर तरेन अपेक्षीत नासत-

(क) ''लाब-दावेदार'' म्हणल्यार जैवीक संसाधनां आनी तांच्या उपफळांचे राखणदार(संरक्षक), तशेतरेच्या जैवीक संसाधनांच्या संदर्भातल्या गिन्यान आनी माहिती, नाविन्यपुराय गजाली तशेंच तांचो उपेग आनी उपाययोजनाच्यो पद्धती हांचो जनक आनी धारक;

(ख) ''जैवीक विविधताय'' म्हणल्यार समेस्त जीवमात्रांमदली आनी ते जांचे एक वांटो जावन आसात ते परिस्थितीकी व्यामिश्रतायेची; परिवर्तनशिलताय, जातूंत संजाती भितरले आनी दोन संजाती मदले परिवर्तनशिलतेचो लेगीत आस्पाव जाता;

(ग) ''जैवीक संसाधनां'' म्हणल्यार वनस्पती, मोनजाती आनी जीवजंतू वा तांचे भाग, तांची जनुकी सामुग्री तशेंच जोड-उत्पादनां (मुल्यवर्धीत उत्पादनां सोडून) प्रत्यक्ष वा संभाव्य उपेगासयत आनी मुल्यासयत; पूण हातूंत मानवी जनुकी साधनांचो आस्पाव जायना;

ध) ''जैव-सर्वेक्षण आनी जैव-उपयोगिताय'' म्हणल्यार जैवीक संसाधनांतल्यो संजाती, उपसंजाती, जनुकां, घटक आनी अर्कांचें खंयच्याय कारणाखातीर सर्वेक्षण करपा वा माहिती एकठांवप, जातूंत गुणधर्म निश्चिती, अविश्करण आनी जैवपरिक्षा हांचो आस्पाव जाता;

(ङ) ''अध्यक्ष'' म्हणल्यार राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचो वा यथास्थिती राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचो अध्यक्ष;

(च) ''वेवसायीक/वेपारी उपायोगिताय'' म्हणल्यार वखदां, उद्देगीक विकरां, (पायसिका), ओलिओ रेजिनां, रंग, अर्क आनी जनुकी माध्यमावरवीं सुदारीत पिकां आनी पशूधना खातीर वापरिल्लीं जनुकां, पूण तातूंत शेतकाम, फळ उत्पादन, कुकडपालन, दूद-वेवसाय, पशू-संवर्धन वा म्होंवामूस पालन हांचे खातीरच्यो चालंत संकर पद्धतींचो वा परंपरीक पद्धतींचो आस्पाव जावचो ना, ह्या जैवीक संसाधनांचो वेपाराखातीर अंतीम उपेग.

(छ) ''लाबाचें योग्य आनी समभाग विभाजन'' म्हणल्यार अनुभाग २१ खाला राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान निश्चीत केल्लें लाभ-विभाजन/वांटणी.

(ज) ''थळाव्यो संस्था'' म्हणल्यार संविधानाच्या कलम २४३ ख च्या उप-कलम (१) आनी कलम २४३ थ च्या उप-कलम (१) भितर अपेक्षीत आशिल्ली पंचायता वा नगरपालिका, मागीर तिचें नांव खंयचेय आसूं. मात जंय पंचायत वा नगरपालिका नासतली थंय संविधानाते खंयचेय तरतुदीप्रमाण वा केंद्राच्या, अधिनियमाप्रमाण वा राज्याच्या अधिनियमा प्रमाण निर्माण जाल्ल्यो स्वराज/स्वप्रशासीत संस्था;

(झ) ''वांगडी'' म्हणल्यार राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचो वा राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचो वांगडी, आनी तातूंत अध्यक्षाचो लेगीत आस्पाव जाता;

(त्र) ''राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण'' म्हणल्यार अनुभाग ८ खाला स्थापन केल्लें राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरण

ट) ''विहीत केल्लें'' म्हणल्यार ह्या अधिनियमाच्या नेमान निर्धारीत केल्लें वा नेमून दिल्लें.

(ठ) ''नियमनां'' म्हणल्यार ह्या अधिनियमा खाला केल्लीं नियमानां

(ड) ''संशोधन'' म्हणल्यार खंयच्याय उपेगाखातीर उत्पादन करप वा उत्पादनां वा प्रक्रियेत बदल घडोवन हाडपाखातीर जैवीक वेवस्थांचो, जीवजंतुंचो वा तातूंतल्यान निर्माण जावपी घटकांचो उपेग करून जैवीक संसाधनांचो वा तंत्रीक वापरांचो अभ्यास करप वा पद्धतशीर तपास करप;

(ढ) ''राज्य जैवीक विविधताय मंडळ'' म्हणल्यार कलम २२ खाला प्रस्थापीत केल्लें राज्य जैवीक विविधताय मंडळ.

(ण) ''स्वयंपोशक उपेग'' म्हणल्यार जैवीक विविधतायेंतल्या घटकांचो, तांचे दीर्घकालीन ऱ्हास (क्षय/घट) जावचोना आनी तातूंतल्यान सद्याच्या आनी फुडाराच्या पिळग्यांचो गरजों आनी हांवेस पुराय करपाची तांची क्षमताय तिगून उरतली, अशे तरेन आनी अशे गतीन उपेग करप.

(त) ''मुल्यवर्धीत उत्पादनां'' म्हणल्यार अशीं उत्पादनां, जातूंत वनस्पती आनी मोनजाती हांच्या वळखूंक यनाशिल्ल्या आनी वेगळावपाक येनाशिल्ल्या रुपांतले भाग(वांटे) वा अर्क.

## पाठ २

# जैवीक विविधतायेच्या वापरांचे नियमन

**कांय व्यक्तींक जैवीक विविधताये संबंदातले उपक्रम, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे मान्यताये बगर राबोवचें न्हय.**

**३.** (१) उप-अनुभाग (२) भितर नमूद केल्ले खंयचेय व्यक्तीन, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे पूर्व-परवानगे बगर, खंयचेंय जैवीक संसाधन वा तेविशींचे खंयचेंच गिन्यान संशोधना खातीर वा वेपारी/वेवसायीक उपयोगिते खातीर प्राप्त करूंक/वापरूंक जायना.

(२) ज्या व्यक्तींक राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाची मान्यताय, उप-अनुभाग(१) खाला घेवप गरजेचें आसा, त्यो व्यक्ती ह्योः-

(क) भारतीय नागरीक नाशिल्ली व्यक्ती;

(ख) आयकर, अधिनियम, १९६१ च्या अनुभाग २ च्या उप-कलम (३०) भितर, भारतीय नागरीक आशिल्ली, पूण अनिवासी थारायिल्ली व्यक्ती. **१९६१ चें ४३**

(ग) समूह संस्था, संघटना वा संस्था/मंडळ-

(i) भारतांत समाविश्ट नाशिल्ली वा भारतांत नोंदणी जावंक नाशिल्ली; वा

(ii) भारतांत प्रचलीत खंयच्याय कायद्याखाला समाविश्ट आशिल्ली वा नोंदणी जाल्ली, पूण जिच्या भाग-भांडवलांत वा वेवस्थानांत कसलीय परदेशी भागीदारी आसा.

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे मान्यताये बगर कांय व्यक्तींक संशोधनाचे निश्कर्श हस्तांतरीत करचे न्हय**

**४.** खंयचेच व्यक्तीन, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे पूर्व-मान्यताये बगर, अर्थीक वा हेर खंयच्याय कारणाखातीर, भारतातल्या वा भारतांत उत्पन्न जाल्ल्या खंयच्याय जैवीक संसाधनांच्या संबंदातल्या कसल्याय संशोधनाचे निश्कर्श, भारताची नागरीक नाशिल्ले व्यक्तीक वा आयकर अधिनियम, १९६१ च्या अनुभाग २ च्या उपकलम (३०) भितर, भारतीय नागरीक आशिल्ले, पूण अनिवासी थारायिल्ले व्यक्तीक वा भारतांत समाविश्ट नाशिल्ले वा भारतांत नोंदणी जावंक नाशिल्ले वा भाग-भांडवलांत वा वेवस्थापनांत कसलीय परदेशी भागीदारी आशिल्ले समूह संस्थेक वा मंडळाक हस्तांतरीत करचे न्हय.

*विस्कावणी*- ह्या अनुभागाच्या संदर्भांत,'हस्तांतरण' हे संकल्पनेंत, खंयच्याय परिसंवाद वा कार्यशाळेंत उजवाडायल्लो शोध-निबंद वा गिन्यानाच्या प्रसाराचो आस्पाव, जर तशेतरेचें प्रकाशन केंद्र सरकाराच्या मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण आसत, जाल्यार जावचोना. **१९६१ चें ४३**

**५.** अनुभाग ३ आनी ४ हांचे उपबंध/तरतुदी, सरकारान पुरस्कृत केल्ल्यो भारतीय संस्था आनी तशेतरेच्यो हेर देशांतल्यो संस्था धरून दोन वा चड संस्थांमदीं, जैवीक संसाधनां वा तांचेकडेन संबंदीत गिन्यान हांचे हस्तांतरण वा देवघेव हांचो आस्पाव आशिल्ल्या संयुक्त शोध-निबंदांक लागू जावचोना, पूण त्या संयुक्त शोध-प्रकल्पांनी उप-अनुभाग (३) भितर घातिल्ल्या अटींची पूर्तताय केल्ली आसूंक जाय.

(२) उप-अनुभाग (१) भितर नमूद केल्ल्या संयुक्त संशोधन प्रकल्पां भायर, जे संशोधन प्रस्तूत अधिनियम अंमलात येवचे पयलींच्या कराराचेर आदरातल्यात, आनी जांचें काम चालू आसा, अशा प्रकल्पांच्या करारांतल्यो जितल्यो तरतुदी ह्या अधिनियमा कडेन वा उप-अनुभाग (३) च्या उप-कलम (क) खाला दिल्ल्या खंयच्याय मार्गदर्शक सुचोवण्यांकडेन विसंगत आसात, त्यो रद्द मनच्यो पडटल्यो.

(३) उप-अनुभाग (१) च्या संदर्भांत, संयुक्त शोध-प्रकल्प

(क) ह्या संदर्भांत केंद्र सरकारान दिल्ल्या मार्गदर्शक-सुचोवण्यांकडेन सुसंगत आसूंक जाय;

(ख) केंद्र सरकारान मान्यताय दिल्ले आसूंक जाय.

**बुद्धीक संपदा हक्कां खातीर राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे मान्यतायेबगर अर्ज करतो न्हय**

**६.** (१) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे पूर्व-परवानगे बगर खंयचेय व्यक्तीक, भारतांतल्यान प्राप्त जाल्ल्या जैवीक संसाधनाविशींचे खंयचेय माहितीचेर वा संशोधनाचेर आदारीत खंयचेय तरेच्या सोदाखातीर भारतांत वा भारता भायर खंयच्याय नांवान पाचारिल्ल्या, खंयचेच तरेच्या बुद्धीक संपदा हक्काखातीर, अर्ज करूंक मेळचो ना.

परंतु, एखादरे व्यक्तीन सनद(पेटंट) मेळोवपा खातीर अर्ज केल्लो आसल्यार, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाची परवानगी सनद मंजूर जातकीय घेवं येता. पूण ही परवानगी सनद प्राधिकारीन सनद मोहोरबंद करचें पयलीं घेवची पडटली. परंतु तशेंच परवानगेखातीरचो अर्ज, तिचेकडेन प्राप्त जाल्ले तारखेच्या णव्वद दिसां भितर, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान निर्णीत करचो पडटलो.

(२) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान, ह्या अनुभागाखाला मान्यताय मंजूर करता आसतना लाब-विभाजन फी वा प्राप्ती-हिस्सो वा दोनय वा तशेतरेच्या हक्कांच्या वेवसायीक उपेगांतल्यान निर्माण जाल्ल्या अर्थीक लाबांच्या विभाजनासयत, अटी लादूं येता.

(३) वनस्पतींच्या प्रकारांची राखण करपा संबंदान संसदेन अधिनियमीत केल्ल्या खंयच्याय कायद्या सकयल्ल्या खंयच्याय हक्काखातीर अर्ज करपी व्यक्तीक, ह्या अनुभागांतल्यो तरतुदी लागू जावच्यो नात.

(४) जेन्ना उप-अनुभाग (३) भितर नमूद केल्ल्या कायद्या सकयल हक्क मंजूर केल्ले आसतात, तेन्ना तशेंतरेचे हक्क मंजूर करपी संबदीत प्राधिकारीन, त्या दस्तावेजाची एक प्रत, शेरो मारून, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाक धाडची पडटली.

**विशिश्ट उद्देशांखातीर जैवीक संसाधनां प्राप्त करपा खातीर राज्य जैवीक विविधताय मंडळाची पूर्व-परवानगी**

**७.** खंयचेय व्यक्ती जीं भारतीय नागरीक जावन आसा, वा भारतांत नोंदणीकृत समूह संस्था, संघटना वा आस्थापनाक, वेवसायीक उपेगाखातीर जैवीक संसाधन वा वेवसायीक उपेगाखातीर जैव-सर्वेक्षण आनी जैव-उपयोगिताय, राज्य जैवीक विविधताय मंडळाक पूर्व-कळोवणी दिले बगर प्राप्त करूंक मेळची ना.

परंतु, देशी वखदांचो वेवसाय करपी जैवीक विविधतायेचे उत्पादक आनी निर्मीक, तशेंच वैज आनी हकीम हांचेसमयत थळाव्या लोकांक आनी त्या वाठारांतल्या समाज-गटांक ह्या अनुभागांतल्यो तरतुदी लागू जावच्या नात.

## पाठ –३

# राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणची स्थापना**

८. (१) केंद्र सरकारान राजपत्रांत अधिसुचोवणे वरवीं जाहीर करूं येत अशे तारखेसावन, ह्या अधिनियमाच्या उद्देशाखातीर, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण ह्या नांवाची एक संस्था स्थापन करची पडटली.

२) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण, ह्या नांवान पाचारिल्ली ही कायम स्वरुपी परंपरेन चलपी स्वतंत्र मोहोर आशिल्ली, तशेंच करार करपाचो, स्थावर आनी जंगम संपत्ती प्राप्त करपाचो, तिचो सांबाळ करपाचो आनी विलो लावपाचो अधिकार आशिल्ली आनी त्याच नांवान तिणें हेरां आड आनी हेरांनी तिचे आड दावो करपाची संस्था आसतली.

३) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचें मुख्यालय चेन्नय हांगा आसतलें, आनी केंद्र सरकाराचे पूर्व मान्यतायेन भारताच्या हेर वाठारांनी ह्या प्राधिकरणान कार्यालयां स्थापन करूं येतलीं.

४) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणांत सकयल दिल्ल्या वांगड्यांचो आस्पाव आसतलोः-

(क) अध्यक्ष- जैवीक विविधतायेचें संवर्धन आनी स्वयंपोशक उपेग तशेंच लाबाच्या समभाग-विभाजनाकडेन संबंदीत गजाली हांचेविशीं पर्याप्त गिन्यान आनी अणभव आशिल्ली, केंद्र सरकारान नियुक्त केल्ली नामांकीत व्यक्ती;

(ख) तीन पदसिद्ध वांगडी- वनवासी वेव्हारांकडेन संबंदीत मंत्रालयाचो एक आनी पर्यावरण आनी रान खात्याकडेन संबंदीत मंत्रालयाचे-जातुंतलो एक रान खात्याचो अतिरिक्त महासंचालक वा महासंचालक आसतलो, अशे दोन मेळून तीन प्रतिनिधी जांची नेमणूक केंद्र सरकार करतलें;

(ग) सात पदसिद्ध वांगडी- जे केंद्र सरकारच्या सकयल दिल्ल्या मंत्रालयांचें प्रतिनिधीत्व अनुमान करतलें.

(i) कृषी अनुसंधान आनी शिक्षण

(ii) जैव- औद्योगिकी

(iii) समुद्र विकास

(iv) कृषी आनी सहकार

(v) भारतीय वखर प्रणाली आनी होमियोपथी

(vi) विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान

(vii) विज्ञानीक आनी उद्देगीक अनुसंधान

(घ) बिगर-सरकारी वांगडी-जैवीक विविधतायेचें संवर्धन, जैवीक संसाधनाचो स्वयंपोशक उपेग आनी जैवीक संसाधनांच्या वापराक लागून निर्माण जाल्ल्या लाबांचें समभाग विभाजन ह्या विशयांचें विशेश गिन्यान, वा अणभव आशिल्ले विशेषज्ञ आनी शास्त्रज्ञ, उद्देगीक प्रतिनिधी तशेंच जैवीक संसाधनांचे संवर्धक, निर्मीक, आनी जाणकार, हांचे मदल्यान नियुक्त करपाचे वांगडी.

**अध्यक्ष आनी वांगड्यांचे सेवेच्यो अटी**

**९.** राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे पदसिद्ध वांगडी सोडून, अध्यक्ष आनी हेर वांगड्यांचो अधिकार काळ आनी सेवेच्यो अटी केंद्र सरकारान निश्चीत केल्ले प्रमाण आसतल्यो.

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचो अध्यक्ष हो मुखेल कार्यकारी अधिकारी**

**१०.** राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचो अध्यक्ष हो मुखेल कार्यकारी अधिकारी आसतलो आनी तो निश्चीत केल्लेप्रमाण अधिकार वापरतलो आनी कार्यां करतलो.

**वांगड्यांक काडून उडोवप**

**११.** केंद्र सरकारान, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या खंयच्याय वांगड्याक काडून उडोवं येता, जो/जी ताच्या मतान-

(क) खांकनवाळ म्हण थारायल्ली व्यक्ती

(ख) नैतीक अधःपातनाच्या गुन्यावांखातीर ख्यास्त जाल्ली व्यक्ती.

ग) शारिरीक वा मानसीक नदरेन वांगडी म्हण कार्य करपाक असमर्थ व्यक्ती; वा

(घ) पदाचो सुमाराभायर गैरवापर केल्ल्यान, वांगडी म्हण दवरूंक भौशीक हिताक बादा हाडपी थारूं येता अशी व्यक्ती; वा

ड) वांगडी म्हण कार्य करप अन्याय्य थारूं येता इतले अर्थीक वा हेर लाब हाताशिल्ली व्यक्ती.

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्यो बसका**

**१२.** (१) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्यो बसका, निर्धारीत केल्लेप्रमाणा नियोजीत वेळार आनी सुवातेर जातल्यो आनी त्या निर्धारीत केल्ले प्रमाण कामकाजाचे प्रक्रियेच्या नेमांक (बसके खातीरची गणपूर्ती धरून) पाळो दितल्यो.

(२) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या बसकांची येजमानकी राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचो अध्यक्ष चलयतलो.

(३) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे खंयचेय बसकेक खंयच्याय कारणाक लागून अध्यक्ष हाजीर रावंक पावलो ना, जाल्यार बसकेक हाजीर आशिल्ल्या राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या वांगड्यांनी वेंचून काडिल्लो एक वांगडी, ते बसकेची येजमानकी चलयतलो.

(४) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे बसकेंक आयिल्ल्या प्रश्नांचो निर्णय, उपस्थित वांगड्यांच्या मताधिक्यान मतदानांतल्यान जातलो आनी मतांची बराबरी जाल्यार, अध्यक्ष वा ताचे गैरहाजिरींत येजमानकी चलोवपी व्यक्तीक दुसरें आनी निर्णायक मत दिवपचो अधिकार आसतलो.

(५) बसकेंत निर्णय जावपी खंयच्याय विशयांत एखादऱ्या वांगड्यांचो, प्रत्यक्ष, अप्रत्यक्ष वा व्यक्तीगत, कसलेय तरेचो संबंद वा हितसंबंद आसल्यार, ताणे तो जाहीरपणान परगटावचो आनी तशी परगटावणी करतकीच ते व्यक्तीन बसकेक हाजिरी लावची न्हय.

(६) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाची खंयचीय कृती वा कामकाज, फकत सकयल दिल्ल्या कारणांक लागून अवैध थारावंक मेळची नाः-

(क) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या संविधानांतली न्युनताय वा दोश; वा

(ख) वांगडी म्हण नेमणूक जाल्ले एखादरे व्यक्तींतलो दोश; वा

(ग) विचाराधीन गजालीचे गुणवत्तेचेर परिणाम जावचोना अशी राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे प्रक्रियेंतली एखादरी अनियमितताय.

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्यो समिती**

**१३.** (१) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान कृषी-जैवीक विविधतायेच्यो बाबी हाताळपाखातीर एक समिती स्थापन करूं येता.

*स्पश्टीकरण*- ह्या अनुभागाच्या संदर्भांत, 'कृषी-जैवीक विविधताय' म्हणल्यार कृषी कडेन संबंदीत जाती आनी तांच्यो समजातीय वन्य-जाती हांची जैवीक विविधताय

(२) आपल्या कर्तव्यांचे कठोर पालन आनी ह्यां अधिनियमा सकयल्ले तिचे कामगिरी खातीर तिका योग्य दिसूं येत तितल्यो समित्यो, उप-अनुभाग (१) च्या तरतुदींक बाधा हाडी नासतना राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान नेमूं येतात.

(३) ह्या अनुभागा खाला स्थापीत समितींत आपले वांगडी नाशिल्लें आनी आपणाक योग्य दिसत इतले वांगडी राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण स्विकृत करून घेतली, आनी त्या स्विकृत वांगड्यांक बसकांक हाजीर रावपाचो आनी कामकाजांत वांटो घेवपाचो अधिकार आसतलो. पूण तांका मतदानाचो अधिकार आसचोना.

(४) उप-अनुभाग (२) खाला स्थापीत समितीच्या नियुक्त केल्ल्या वांगड्यांक, समितीच्या बसकांक हाजीर रावपा खातीर, केंद्र सरकारान निश्चीत केल्ले प्रमाण भत्ते वा फी स्विकारपाचो हक्क आसतलो.

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे अधिकारी आनी कर्मचारी**

**१४** (१) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान ह्या अधिनियमांतल्या आपल्या कार्यांची सक्षमतायेन पुर्तताय करपाखातीर गरजेच्या दिशिल्ल्या अशा अधिकाऱ्यांती आनी हेर कर्मचाऱ्यांची नेमणूक करूं येता.

(२) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या तशा अधिकाऱ्यांचे आनी हेर कर्मचाऱ्यांचे सेवेच्यो अटी आनी शर्ती नियमांवरवीं निश्चीत करूं येतात.

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या आदेशांचे आनी निर्णयाचें सत्यप्रमाणांकन**

**१५.** राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या सगल्या आदेशांचें आनी निर्णयांचें, अध्यक्षांचे वा राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान हेखातीर प्राधिकृत केल्ल्या खंयच्याय हेर वांगड्याचे निशाणेन सत्यप्रमाणांकन जातलें, आनी राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान कार्यान्वीत केल्ल्या हेर सगल्या दस्तावेजांचें सत्यप्रमाणांकन, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान हेखातीर प्राधिकृत केल्ल्या अधिकाऱ्याचे निशाणेन जातलें.

**अधिकारी प्रदान**

**१६.** राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान, एका सर्वसादारण वा खाशेल्या लिखीत आदेशा वरवीं, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या खंयच्याय वांगड्याक, अधिकाऱ्याक वा आदेशांत नमूद केल्ले प्रमाण, आसल्यार, तशा अटींचे अधीनतायेन, हेर खंयचेय व्यक्तीक, ह्या अधिनियमा सकयल्ले, तिका गरजेचे दिशिल्ले अधिकार आनी कार्यां (अनुभाग ५० खाला अपील दाखल करपाच्या आनी अनुभाग ६४ खाला नियमनां घडोवपाच्या अधिकारांचे आडवाद सोडून) दिवं येतात.

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचो खर्च भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान दिवप**

**१७.** राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या वांगड्यांचे देय पगार आनी भत्ते आनी प्रशासकी खर्च, जातूंत राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या अधिकाऱ्यांचे आनी हेर कर्मचाऱ्यांचे देय वा तांच्या, संदर्भांतले पगार, भत्ते आनी देय निवृत्तीवेतन हांचोय आस्पाव जाता, तेविशिंचो खर्च भारताच्या एकवटीत निधींतल्यान फाटीक करचें.

## पाठ ४

# राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचीं कार्यां आनी अधिकार

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचीं कार्यां आनी अधिकार**

**१८.**(१) अनुभाग ३,४ आनी ६ भितर नमूद केल्लेभशेन उपक्रमांचें नियमन करप आनी नियमनां वरवीं जैवीक संसाधनांच्या न्याय्य आनी समभाग लाब विभाजना खातीर मार्गदर्शक सुचोवण्यो जारी करप हें राष्ट्रीय जैवीक विविधताय मंडळाचें कर्तव्य आसतलें.

(२) अनुभाग ३,४ आनी ६ भितर नमूद केल्ले प्रमाण खंयचोय उपक्रम राबोवपाक राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान मान्यताय दिवं येता.

(३) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचीं कार्यांः

(क) जैवीक विविधतायेचें संवर्धन, तिच्या घटकांचो सम्यक उपेग, आनी जैवीक संसाधनां वापरतकीच निर्माण जाल्ल्या लाबांचें समभाग विभाजन हांचेविशींच्या गजालींनी केंद्र सरकाराक सल्लो दिवप.

(ख) जैवीक विविधतायेचे नदरेन महत्त्वाचीं थळा/वाठार वेंचपाक आनी अनुभाग ३७ च्या उप-अनुभाग (१) खाला ते 'वरसो-वास्तू' म्हण अधिसूचीत करपाक तशेंच तांच्या वेवस्थापना खातीर उपाय येवजण्यो करपाक राज्य सरकारांक सल्लो दिवप.

(ग) ह्या अधिनियमांतल्यो तरतुदी चालीक लावपाचे नदरेन गरजेची ती हेर कार्यां करप.

(४) भारतांत प्राप्त जाल्लीं खंयचेंय जैवीक संसाधन आनी तांचेकडेन संबंदीत गिन्यान, (जें भारतांत निर्माण जालां) हांचेविशींचे बुद्धीक संपदा हक्क भारता भायल्या खंयच्याय देशाक, मंजूर करपाक विरोध करपाचे नदरेन गरजेचीं पावलां; केंद्र सरकारचे वतीन राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान उबारूं येतात.

# पाठ ५

# राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाची मान्यताय

**विशिश्ट उपक्रम हातांत घेवंक राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाची मान्यताय**

**१९.** (१) अनुभाग ३ च्या उप-अनुभाग (२) भितर नमूद केल्ले प्रमाण, भारतांतलें खंयचेंय जिवीक संसाधन वा ताचेकडेन संबंदीत गिन्यान, संशोधना खातीर वा वेवसायीक वा भारतांतल्या वा भारतांत निर्माण जाल्ल्या जैवीक संसाधनां विशींच्या खंयच्याय संशोधनाचे निश्कर्श प्राप्त करूंक सोदपी खंयचेय व्यक्तीन राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकणान विहीत केल्ल्या फॉर्मावरवीं अर्ज करूंक जाय आनी विहीत केल्लेप्रमाण फी फारीक करची पडटली.

(२) अनुभाग ६ च्या उप-अनुभाग (१) भितर नमूद केल्लेप्रमाण भारतांत वा भारताभायर पेटंट (स्वामित्त्व हक्क) वा हेर कसल्याय स्वरुपाच्या बुद्धीक संपदा संरक्षणा खातीर अर्ज करूंक सोदपी व्यक्तीन, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकणान विहीत केल्ल्या फॉर्मावरवीं आनी विहीत केल्ले पद्धतीन अर्ज करूं येता.

(३) उप-अनुभाग (१) वा उप-अनुभाग (२) खाला अर्ज प्राप्त जातकीच, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकणान, आपणाक योग्य दिसत अश्यो चौकश्यो करतकीच आनी गरज पडल्यार हे खातीर संस्थापीत जाणकार समितीकडेन सल्लोमसलत करून, तेखातीरचे केल्ले खंयचेय नियमांचे अधीनतायेन आनी प्राप्ती-हिश्श्या वरवीं अधिभार लादपा सयत, योग्य दिसता त्यो अटी आनी शर्ती हांचे अधिनतायेन, आदेशा वरवीं मान्यताय मंजुरी दिवं येता, वा ते संबंदीची लिखीत कारणां दिवन, अर्ज भायर मारूं येता.

परंतु व्यथीत व्यक्तीक ताची बाजू मांडपाची संद दिलेबगर अर्ज भायर मारपाचो खंयचोय आदेश दिवंक जायना.

(४) ह्या अनुभागा खाला मंजूर केल्ले दरेके मान्यतायेची राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकणान भौशीक सुचोवणी काडूंक जाय.

**२०** (१) अनुभाग १९ खाला मान्यताय जाल्लें खंयचेच व्यक्तीन, सदर मान्यतायेचो विशय आशिल्लें खंयचेंच जैवीक संसाधन वा ताचेकडेन संबंदीत गिन्यान, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे परवानगे बगर हस्तांतरीत करूंक जायना.

(२) उप-अनुभाग (१) भितर नमूद केल्लें खंयचेंय जैवीक संसाधन वा ताचेकडेन संबंदीत गिन्यान हस्तांतरीत करूंक सोदपी व्यक्तीन राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान विहीत केल्ल्या फॉर्मा वरवीं आनी विहीत केल्ले पद्धतीन अर्ज करचो पडटलो.

(३) उप-अनुभाग (२) खाला अर्ज प्राप्त जातकीच, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान, योग्य दिसत अशे चौकशे उपरांत आनी गरज पडल्यार तेखातीर संस्थापीत जाणकार समितीकडेन सल्लोमसलत करून प्राप्ती-हिश्श्या वरवीं अधिभार लादपा सयत, योग्य दिसत अश्यो अटी आनी शर्ती हांचे अधीनतायेन, एका आदेशावरवीं मान्यताय दिवं येता, वा कारणांची लिखीत नोंद करून अर्ज भायर उडोवं येता.

परंतु व्यथीत व्यक्तीक ताची बाजू मांडपाची संद दिल्ले बगर खंयचोय आदेश भायर मारूंक जायना.

(४) ह्या अनुभागाखाला मंजुरी दिल्ल्या दरेके मान्यतायेची, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान, भौशीक सुचोवणी काडूंक जाय.

**जैवीक संसाधन वा गिन्यानाचें हस्तांतरण**

**२१.** (१) प्राप्त जैवीक संसाधनां, तांची उप-फळां, नाविन्यां आनी तांच्या वापराकडेन आनी उपयोजनांकडेन संबंदीत पद्धती तशेंच तांचेकडेन संबंदीत गिन्यान हांच्या वापराक लागून निर्माण जाल्ल्या लाबांच्या समभाग विभाजनाची हमी, ते मान्यताये खातीर अर्ज करपी अर्जदार, संबंदीत थळाव्यो संस्था आनी लाब-दावेदार हांचे मदल्या परस्पर

समाजिकायेच्या करारांत आसतली हाची खात्री अनुभाग १९ वा अनुभाग २० खाला मान्यताय दिता आसतना राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान करची पडटली.

(२) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान, हेविशीं केल्ल्या खंयच्याय नियमाचे अधीनतायेन, लाब विभाजनाची निश्चिती करची पडटली आनी ताची अंमलबजावणी सकयल दिल्ल्या साबार वा खंयच्याय एके पद्धतीन करचीः-

(क) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाक वा जेन्ना लाब-दावेदार खबर आसात तेन्ना तांकां, बुद्धीक संपदा हक्कांची संयुक्त मालकी मंजूर करप;

(ख) तंत्रज्ञान हस्तांतरण;

(ग) उत्पादन, संशोधन आनी विकासाचे एकक लाब दावेदारांकडचें जीवनमान सुदारूंक मदत जातली अशा वाठारांनी स्थापन करप.

(घ) जैवीक संसाधना जैव-सर्वेक्षण आनी जैव-उपयोगिता हांच्या संशोधन आनी विकासाखातीर भारतीय शास्त्रज्ञ, लाब दावेदार आनी थळाव्या लोकांच्यो संघटना;

(ङ) लाब-दावेदारांचे मदतीखातीर जोखीम भांडवल निधी स्थापीत करप;

(च)राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाक योग्य दिसत ते तरेन लाब-दावेदारांक अर्थीक भरपाय आनी हेर बिगर-अर्थीक लाब मेळोवन दिवप;

(छ) लाब विभाजन म्हण आदेशीत रक्कम, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान,राष्ट्रीय जैवीक विविधताय निधींत जमा करपाचो निर्देश करूं येताः

(३) जेन्ना एखादरी रक्कम लाबाचो वांटो म्हण फारीक करपाचो आदेश जाल्लो आसता, तेन्ना राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणान ती रक्कम राष्ट्रीय जैव विविधताय निधींत जमा करपाचो आदेश करूं येता.

परंतु, जेन्ना जैवीक संसाधन वा गिन्यान विशिश्ट व्यक्ती वा व्यक्ती-समुह वा संस्था हांच्या वापरांतल्यान प्राप्त आसता तेन्ना राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान, ती रक्कम तशी व्यक्ती वा व्यक्ती-समुह वा संस्था हांकां ते संबंदीच्या खंयच्याय कराराप्रमाण आनी ताका योग्य दिसत ते तरेन, थेट फारीक करपाचो आदेश दिवं येता.

(४) ह्या अनुभागाच्या संदर्भांत, केंद्र सरकाराकडेन सल्लोमसलत करून राष्ट्रीय विविधताय मंडळान नियमांवरवीं मार्गदर्शन तत्त्वां घडोवचीं पडटली.

## पाठ ६

# राज्य जैवीक विविधताय मंडळ

**(राज्य जैविक विविधताय मंडळाची स्थापना)**

**२२.**(१) राज्य सरकार राजपत्रांत हेखातीर जी तारीख निश्चीत करतली, ते तारखेक थंयच्या राज्य सरकारान ह्या अधिनियमाच्या उद्दिश्टां खातीर एक मंडळ स्थापीक करपाक जाय, जाका ------- (राज्याचें नांव) जैवीक विविधताय मंडळ म्हण पाचारतलें.

(२) हेविशीं ह्या अनुभागांत हेर कितेय आसलें तरी, केंद्र-शासीत प्रदेशांत वा प्रदेशाखातीर राज्य जैवीक विविधताय मंडळ स्थापन जावचें ना. केंद्र-शासीत प्रदेशाखातीर राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण अधिकार वापरतलें आनी त्या केंद्र-शासीत प्रदेशाखातीर राज्य जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचीं कार्यां करतलें.

परंतु खंयच्याय केंद्र-शासीत प्रदेशाच्या संदर्भांत, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान, केंद्र सरकारान खाशेलो निर्देश केल्ले खंयचेय व्यक्तीक वा व्यक्ती समुहाक या उप-अनुभागांतले तिचे सगले वा कांय अधिकार आनी कार्यां दिवं येतात.

(३) वयल्या नांवान पाचारिल्लें हें मंडळ, कायम स्वरुपी परंपरेन चलपी, स्वतंत्र मोहोर आशिल्ली, तशेंच करार करपाचो, स्थावर आनी जंगम संपत्ती प्राप्त करपाचो, तिचो सांबाळ करपाचो आनी विलो लावपाचो अधिकार आशिल्ली आनी त्याच नांवान तिणें हेरांआड आनी हेरांनी तिचे आड दावो करपाची संस्था आसतली.

(४) ह्या मंडळांत सकयल दिल्ल्या वांगड्यांचो आस्पाव आसतलोः-

(क) अध्यक्ष- जैवीक विविधतायेचें संवर्धन आनी स्वयंपोशक उपेग तशेंच लाबाच्या समभाग-विभाजनाकडेन संबंदीत गजाली हांचेविशीं पर्याप्त गिन्यान आनी अणभव आशिल्ली, राज्य सरकारान नियुक्त केल्ली नामांकीत व्यक्ती;

(ख) चडांत चड पांच पदसिद्ध वांगडी राज्य सरकाराच्या संबंदीत खात्याचे राज्य सरकारान नेमणूक केल्ले प्रतिनिधी.

(ग) चडांत चड पांच वांगडी जांची, जैवीक विविधतायेचें संवर्धन, जैवीक संसाधनांच्या स्वयंपोशक उपेग आनी जैवीक संसाधनांच्या वापराक लागून जाल्ल्या लाबांचे समभाग विभाजन ह्या विशयांतल्या जाणकारां मदल्यान नेमणूक जातली.

(५) राज्य सरकारान राजपत्रात उजवाडायिल्ले अधिसुचोवणे वरवीं निर्देश केल्ल्या थळांचेर राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचे मुखेल कार्यालय आसतलें.

**राज्य जैवीक विविधताय मंडळाची कार्यां**

**२३.** राज्य जैवीक विविधताय मंडळाची कार्यां अशीं आसतलींः

(क) जैवीक विविधतायेचें संवर्धन, तिच्या घटकांचो स्वयंपोशक वापर आनी जैवीक संसाधनांच्या उपेगाक लागून जाल्ल्या लाबांचे समभाग विभाजन ह्या विशयांनी, केंद्र सरकारान घालून दिल्ल्या मार्गदर्शक सुचोवण्यांचे अधीनतायेन राज्य सरकाराक सल्लो दिवप.

(ख) जैवीक संसाधनांची वेवसायीक उपयोगिता वा जैव-सर्वेक्षण आनी जैव-उपयोगिता हांचेखातीर भारतीयांच्या विनंती अर्जांक मान्यताय दिवप वा हेरभाशेन करपाचें कार्य-नियमन करप.

(ग) ह्या अधिनियमांतल्या वा राज्य सरकारान निर्धारीत केल्ल्या तरतुदींचे पुर्ततायेखातीर गरजेची अशीं हेर कार्यां करप.

**संवर्धन उद्दिश्टां आदीच्या बाबतींत उल्लंघन करपी कांय विशिश्ट उपक्रमाचेर निर्बंद घालपाचो राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचो अधिकार**

**२४.** (१) अनुभाग ७ भितर नमूद केल्ले प्रमाण खंयचोय उपक्रम हातांत घेवंक सोदपी खंयच्याय भारतीय नागरिकान वा भारतांत नोंदणीकृत समुह संस्थेन, आस्थापनान वा संघटनेन, राज्य जैवीक विविधताय मंडळाक, राज्य सरकारान विहीत केल्ल्या अशा फॉर्मा वरवीं पूर्व-कळोवणी दिवची पडटली.

(२) उप-अनुभाग (१) मदीं नमूद केल्ली पूर्व-सुचोवणी प्राप्त जातकीच, राज्य जैवीक विविधताय मंडळान, संबंदीत थळाव्या संस्थांकडेन चर्चा करून तांका योग्य दिशिल्ली चौकशी करून, जर तांच्या मतान तें कार्य संरक्षणाच्या उद्देशाक, जैवीक विविधतायेच्या पोशाक उपयोगितेक वा त्या कार्यातल्यान निर्माण जावपी लाबाचे न्याय वांटणेक विसंगत वा तत्वाआड आसत जाल्यार आदेशा वरवीं तशा कार्याक प्रतिबंध वा निर्बंध करूं येता.

परंतु अशा आदेशाक लागून बाधीत व्यक्तीक, ताची बाजू मांडपाची संद दिलेबगर, असो आदेश काडूंक मेळचो ना.

(३) पूर्व-सुचोवणे खातीर उप-अनुभाग (१) मदीं दिल्ली कसलेय तरेची माहिती गोपनीय दवरची पडटली आनी हेतूपूर्वक हेतू नासतना, तिचेकडेन संबंद नाशिल्ले व्यक्तीक उक्ती करपाक मेळचीना.

**अनुभाग ९ ते १७ हांचेमदल्यो तरतुदी राज्य जैवीक विविधताय मंडळांक दुरुस्त्यां सयत लागू जातल्यो**

**२५.** अनुभाग १ ते १७ तल्यो तरतुदी राज्य जैवीक विविधताय मंडळाक लागू जातल्यो आनी तांची अंमलबजावणी सकयल दिल्ल्या दुरुस्त्यांचे अधीनतायेन जातलीः-

(क) 'केंद्र सरकाराकडेन संबंदीत' हाचे सुवातेचेर राज्य सरकाराकडेन संबंदीत अशे मानचें;

(ख) 'राज्य जैवीक विविधताय प्राधिकरणाकडेन संबंदीत' हाचे सुवातेर राज्य जैवीक विविधताय मंडळ अशें मानचें;

(ग) 'भारताचो एकवटीत निधी' हाचे सुवातेर 'राज्याचो एकवटीत निधी' अशें मानचें.

## पाठ ७

# राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचें वित्त, लेखा आनी लेखा परिक्षण

**केंद्र सरकाराकडल्यान रिणां वा अनुदानां**

**२६.** केंद्र सरकारान कायद्या वरवीं विनियोग करतकीच, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाक, अनुदान वा रिणाच्या रुपांत, केंद्र सरकाराक ह्या कायद्याच्या उद्देशांखातीर खर्च करूंक योग्य दिसत, ती रक्कम दिवं येता.

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय निधींची स्थापना**

**२७.** (१) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय निधी ह्या नांवान एक निधी उबारतले आनी तातूंत सकयल दिल्ल्यो रकमो जमा करतले-

(क) अनुभाग २६ खाला राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान दिल्लें कसलींय अनुदानां आनी रिणां;

(ख) ह्या अनुभागावरवीं राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाक प्राप्त जाल्लो मोबदलो आनी प्राप्ती हिश्श्यांची रक्कम; आनी

(ग) केंद्र सरकारान थारावन दिल्ल्या हेर स्त्रोतांवरवीं राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाक प्राप्त जाल्ली सगली रक्कम.

(२) निधीचो उपेग सकयल दिल्ल्या गजालींखातीर करचो पडटलोः-

(अ) दावेदारांमेरेन लाब पावोवप.

(ख) जैवीक संसाधनांच्या संरक्षणाखातीर आनी संवर्धनाखातीर ज्या वाठारांतल्यान जैवीक संसाधन वा ताचेविशींचें गिन्यान उपलब्ध जालां, अशा वाठाराचे उदरगती खातीर

(ग) संबंदीत थळाव्या संस्थांकडेन चर्चा करून उप-कलम (ख) भितर नमूद केल्ल्या वाठारांच्या समाजीक आनी अर्थीक विकासाखातीर.

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचो वर्सुकी अहवाल**

**२८.** फाटल्या अर्थीक वर्सांतल्या पुराय घडवणुकांचो तपशील दिवपी, दरेका अर्थीक वर्साचो अहवाल, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान विहीत नमुन्यांत आनी विहीत वेळाभितर तयार करचो पडटलो, आनी विहीत वेळा पयलीं केंद्र सरकाराक दिवचो पडटलो. ताच्या वांगडा लेखा-परिक्षकान मान्य केल्ल्या हिशेबाची प्रत आनी लेखा परिक्षकाचो अहवाल लेगीत दिवचो पडटलो.

**अदमासपत्र, लेखा आनी लेखा परिक्षण**

**२९.**(१) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान अदमासपत्र तयार करचें पडटलें, फावो त्या लेखा आनी हेर संबंदीत कागदपत्रांची नोंद तातूंत दवरची पडटली. (हातूंत राष्ट्रीय जैवीक विविधताय निधीच्या लेखा आनी हेर संबंदीत दस्तावेजांचो आस्पाव जाता). केंद्र सरकारान विहीत केल्ले प्रमाण आनी भारताच्या नियंत्रक महालेखा परिक्षकाकडेन भासाभास करून वर्सुकी लेखा विवरणपत्र तयार करचें पडटले.

(२) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे लेखा, भारताच्या नियंत्रक महालेखा परिक्षकान, ताणे विहीत केल्लेप्रमाण थारावीक मुजती भितर तपासचे पडटले आणि तपासणेखातीर जाल्लो खर्च राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान भारताच्या नियंत्रक महालेखा परिक्षकाक दिवचो पडटलो.

(३) भारताच्या नियंत्रक महालेखा परिक्षकाक सरकाराच्या लेखा परिक्षणाचे बाबतींत जे अधिकार आसतात, तेच अधिकार आनी विशेशाधिकार, भारताच्या नियंत्रक महालेखा परिक्षकाक वा तांणी राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाच्या

लेखा परिक्षणाखातीर नेमिल्ले व्यक्तीक आसतले. खासा करून ताका पुस्तकां, लेखाविशींची चलना, हेर दस्तावेज आनी कागदपत्रां भेटोवपाची मागणी करपाचो आनी राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचें खंयचेंय कार्यालय तपासपाचो अधिकार आसतलो.

(४) भारताच्या नियंत्रक महालेखा परित्रकान वा ताणे नियुक्त केल्ले व्यक्तीन प्रमाणीत केल्ले राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचे हिशोब, ताच्या लेखा-परिक्षण अहवालासयत, दर वर्सां केंद्र सरकाराकडेन धाडचे पडटले.

**वर्सुकी अहवाल संसदेमुखार मांडप**

**३०.** केंद्र सरकारान वर्सुकी अहवाल आनी लेखा परिक्षण अहवाल, प्राप्त जातकीच बेगीनांत बेगीन ते संसदेच्या दोनय सभाघरांमुखार मांडचे पडटले.

## पाठ ८

# राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचें वित्त, लेखा आनी लेखा-परिक्षण

**राज्य सरकाराकडल्यान राज्य जैवीक विविधताय मंडळाक अनुदान**

**३१.** राज्य विधीमंडळान हे खातीर विनियोग केल्या उपरांत, राज्य सरकारान, राज्य जैवीक विविधताय मंडळाक अनुदान वा कर्ज स्वरुपांत, ह्या कायद्याच्या उद्देशाखातीर, योग्य दिसता ती रक्कम दिवं येता.

**राज्य जैवीक विविधताय निधीचें गठन**

**३२.** (१) राज्य जैवीक विविधताय निधी ह्या नावांन निधी उबारतले आनी तातूंत सकयल्ल्यो रकमो जमा करतले-

(क) अनुभाग ३१ खाला, राज्य जैवीक विविधताय मंडळाक मेळिल्लें अनुदान वा रीण;

(ख) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान दिल्ले अनुदान;

(ग) राज्य सरकारान थारावन दिल्ल्या हेर स्त्रोतांवरवीं राज्य जैवीक विविधताय मंडळाक प्राप्त जाल्ली सगली रक्कम.

(२) राज्य जैवीक विविधताय निधीचो उपेग सकयल दिल्ल्या गजालींखातीर करचो पडटलो-

(क) वारसो- क्षेत्राचें वेवस्थापन आनी संरक्षण;

(ख) अनुभाग ३७, उप-अनुभाग (१) खाला जाहीर सुचोवणेक लागून अर्थीक नदरेन बाधीत जाल्ल्या लोकांक नुकसान भरपाय दिवपाखातीर आनी तांच्या पुनर्वसना खातीर;

(ग) संबंदीत थळाव्या संस्थांकडेन भासाभास करून, अनुभाग २४ खाला केल्ल्या खंयच्याय आदेशाचे अधीनतायेन, ज्या वाठारांतल्यान जैवीक संसाधन वा ताचेविशींची माहिती उपलब्ध जाल्या, त्या वाठारांच्या समाजीक आनी अर्थीक विकासाखातीर.

(घ) ह्या अधिनियमान अधिकृत केल्ल्या कारणांखातीर जाल्लो खर्च भरून काडपा खातीर.

**राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचो वर्सुकी अहवाल राज्य विधी मंडळा मुखार दवरप**

**३३.** फाटल्या अर्थीक वर्सांतल्या पुराय घडामोडींचो तपशील दिवपी दरेका अर्थीक वर्साचो अहवाल, राज्य जैवीक विविधताय मंडळान, विहीत नमुन्यांत आनी विहीत वेळाभितर तयार करचो पडटलो आनी ताची प्रत राज्य सराकाराक दिवची पडटली.

**राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचें लेखा परिक्षण**

**३४.** राज्याच्या महालेखा अधिकाऱ्याकडेन सल्लोमसलत करून ताणे विहीत केल्ले प्रमाण, राज्य जैवीक विविधताय मंडळान लेखा आनी लेखा-परिक्षण करून घेवचें पडटलें. तशेंच राज्य जैवीक विविधताय मंडळान विहीत केल्ले तारखे पयलीं राज्य सरकाराक लेखा परिक्षीत हिशेबाची प्रत, लेखा परिक्षण अहवालासयत दिवची पडटली.

**३५.** राज्य सरकारान वर्सुकी अहवाल आनी लेखा-परिक्षण अहवाल प्राप्त जातकीच, बेगीनांत बेगीन तो राज्य विधी मंडळाच्या दोनय, सभाघरांमुखार मांडचो पडटलो.

## पाठ ९

# केंद्र आनी राज्य सरकारचीं कर्तव्यां

**राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचो वर्सुकी अहवाल राज्य विधी मंडळा मुखार दवरप**

**३६.**(१) जैवीक संसाधनांचे बाबतींत संपन्न आशिल्ल्या वाठारांच्या निश्चिती खातीर आनी तांची देखभाल करपाखातीर प्रकृतीवास-क्षेत्रांत आनी प्रकृतीवासा भायल्या क्षेत्रांचें वर्धन, जैवीक संसाधनांचें संरक्षण, संशोधनाक उर्बा, जनजागृताय करपाचे नदरेन प्रशिक्षण आनी लोकशिक्षण दिवपाचे नदरेन केंद्र सरकारान राष्ट्रीय येवजण/धोरण, आराखडे आनी कार्यावळी विकसीत करच्यो पडटल्यो.

(२) जैवीक विविधताय, जैवीक संसाधनां तशेंच तांचो प्रकृतीवास हांचेबाबतींत समृद्ध वाठारांक, अतिरिक्त वापर, गैरवापर वा आजनदरेक लागून धोको निर्माण जाल्याची खात्री जाली जाल्यार, केंद्र सरकारान, संबंदीत राज्य सरकाराक बेगोबेग सुधारपाच्यो उपाय-येवजण्यो राबोवपाचे आदेश दिवंक जाय आनी संबंदीत राज्य सरकाराक गरजेचे आनी शक्य तितले तांत्रीक आनी हेर पालव दिवंक जाय.

(३) केंद्र सरकारान शक्य आसत तितले आनी संयुक्तीक दिसत थंय, जैवीक विविधतायेची राखण, संवर्धन आनी ताच्या स्वयंपोशक उपेगाचे नदरेन येवजणेंत, कार्यावळींनी आनी धोरणांनी संबंदीत क्षेत्र आनी प्रतिक्षेत एकत्रीत करूंक जाय.

(४) केंद्र सरकारान सकयल दिल्लो उपाय-येवजण्यो राबोवपाक जायः-

(i) जंय गरज आसा थंय, जैव विविधतायेचेर प्रतिकूल परिणाम करपाची शक्यताय आशिल्ल्या प्रकल्पांचे पर्यावरणीय परिणाम टाळपाचे वा उणे करपाचे नदरेन मोलावणी फावो थंय तशी मोलावणी करूंक लोकांचो सहभाग करून घेवप.

(ii) जैव विविधतायेच्या संरक्षणाचेर आनी ताच्या स्वयंपोशक उपेगाचेर तशेंच मनशाचे भालायकेचेर प्रतिकूल परिणाम जावपाची शक्यताय आशिल्ल्या अशा जैवीक तंत्रगिन्याना वरवीं निर्माण जावपी सुधारीत-सजीव जातींच्या वापराक लागून वा प्रसाराक लागून निर्माण जावपी धोक्यांचें नियमन, वेवस्थापन आनी निमंत्रण करप.

(५) राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणाच्या शिफारशी प्रमाण जैवीक विविधताये विशींच्या थळाव्या लोकांच्या गिन्यानांचो, केंद्र सरकारान आदर आनी राखण करपाक जाय. हातूंत असादारण प्रणालींसयत, तशेतरेच्या थळाव्या, राज्य आनी राष्ट्रीय पावंड्यावेल्या गिन्यानाची नोंदणी करप आनी ताचे राखणे खातीर हेर उपाय-येवजण्यो राबोवप, हांचो आस्पाव आसतलो.

स्पशटीकरण- ह्या अनुभागाच्या उद्देशांखातीर,-

(क) ‘प्राकतीबाह्य संरक्षण’ म्हणल्यार जैव विविधतायेच्या घटकांचें तांच्या सैमीक वाठारा भायलें संरक्षण जोपासल्यात तें भोंवतणेंत.

(ख) ‘मुळावो प्राकृतीवास’ म्हणल्यार परिसंस्थेचे आनी सैमीक मुलस्थानाचें संरक्षण करप, तशेंच सैमीक वातावरणांत आनी परंपरीक वा पैदास केल्ल्या जातींच्या बाबतीत, तांणी जे भोंवताणेंत खाशेले गुणधर्म जोपासल्यात ते भोंवताणेंत, त्या जातींची जिवीतक्षम संख्या तिगोवप आनी तांचें पुनरुज्जीवन करप.

**जैवीक विविधताय वारसों-क्षेत्रां (दायज-क्षेत्रां)**

**३७** (१) प्रचलीत आशिल्ल्या हेर खंयच्याय कायद्याक बाधा हाडिनासतना, राज्य सरकारान वेळावेळार थळाव्या संस्थांकडेन सल्लोमसलत करून, जैवीक विविधतायेचे नदरेन महत्त्वाच्या आशिल्ल्या क्षेत्रांक, ह्या कायद्याखाला जैवीक विविधतायेचीं वारसो-क्षेत्रां म्हूण राजपत्रांत अधिसुचीत करूं येता

(२) केंद्र सरकाराकडेन सल्लो मसलत करून राज्य सरकारान सगळ्या वारसो क्षेत्रांच्या वेवस्थापनाखातीर आनी संरक्षणा खातीर नेमावळ तयार करूं येता.

(३) त्या राजपत्रांतले घोशणेक लागून अर्थीक नदरेन फटको बशिल्ल्या/बाधीत व्यक्तीक वा व्यक्तींच्या समुहाक नुकसान भरपाय दिवपाखातीर वा तांच्या पुनर्वसनाखातीर राज्य सरकारान येवजण तयार करची पडटली.

**धोको निर्माण जाल्ल्यों जाती अधिसुचीत करपाचो केंद्र सरकारचो अधिकार**

**३८.** प्रचलीत आशिल्ल्या हेर खंयच्याय कायद्याक बाधा हाडिनासतना, केंद्र सरकारान, संबंदीत राज्य सरकाराकडेन सल्लोमसलत करून वेळावेळार ज्यो जाती नश्ट जावपाच्या मार्गार आसात वा धोको निर्माण जाल्ली जात फुडाराक बेगीन ना जावपाची शक्यताय आसत, जाल्यार त्या जातीच्या खंयच्याय वापराक प्रतिबंध करपा खातीर वा तो वापर नियमित करपा खातीर तशेंच त्या जातीचे पुनर्वसन आनी परिक्षण करपाखातीर फावो ती उपाय-येवजण करूं येता.

**केंद्र सरकारचे संग्रहालय निर्देशीत करपाचे अधिकार**

**३९**.(१) केंद्र सरकारान राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाकडेन सल्लोमसलत करून, ह्या अधिनियमाखाला विंगड-विंगड वर्गवारीच्या जैवीक संसाधनांखातीर कांय संस्थांक संग्रहालय म्हण निर्देशीत करूं येता.

(२) ह्या संग्रहालयांनी जैवीक सामुग्री, तांचेकडेन जमा जाल्ल्या प्रमाणीत नमुन्यासयत सुरक्षाकक्षांत दवरच्यो पडटल्यो.

(३) एखादरे व्यक्तीन नव्या वर्गकाचो सोद लायल्यार, तो संग्रहालयाक वा संग्रहालया खातीर निर्देशीत केल्ले संस्थेक अधिसूचीत करचो पडटलो आनी ते व्यक्तीन तो नमुनो-वर्गक त्या संग्रहालयांत वा संस्थेंत जमा करचो पडटलो.

**४०.** ह्या अधिनियमांत कितेंय आसलें तरी, केंद्र सरकारान राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणाकडेन सल्लोमसलत करून, राजपत्रांत अधिसुचोवणी दिवन, जैवीक संसाधनांसयत, वेपारीमाल म्हूण वापरिल्ल्या जिन्नसांक ह्या अधिनियमांतल्यो तरतुदी लागू जावच्यो नात, अशें जाहीर करूं येता. **कांय जैव संसाधनांक वगळपाचो/ सवलत दिवपाचो केंद्र सरकाराचो अधिकार**

## पाठ १०

# जैव विविधताय वेवस्थापन समित्यो

**जैव विविधताय वेवस्थापन समित्यो**

**४१.**(१) दरेकले थळावे संस्थेन त्या वाठाराचे राखणेक हातभार लावप, पोशक उपेग आनी जैवीक

विविधतायेचे दस्तावेज, जातूत प्राकृतीवासाचें परिरक्षण, भूमीवंश, लोक प्रकार आनी मशागत-प्रणाली, पाळीव वंश आनी संकरीत पशू, सुक्ष्मजीव हांचे संरक्षण आनी जैवीक विविधतायेच्या गिन्यानाचो कालक्रमा प्रमाण अहवाल हांचो आस्पाव आसतलो. तेखातीर जैवीक विविधताय वेवस्थापन समिती स्थापन करूंक जाय.

*विस्कावणी* - ह्या उप-अनुभागाखातीर

(क) ''संस्कारीत प्रजाती'' म्हणल्यार वनस्पतीची अशी जात जी कृषी लागवडेतल्यांन रुजली आनी तिगली वा फकत लागवडेखातीरच संकरीत केल्ली अशी जात.

(ख) ''लोक-प्रकार'' म्हणल्यार लागवडेंतल्यान विकसीत केल्लो, वाडयल्लो आनी अनुपचारीक, रितीन शेत-कामत्यांमदीं आदा-प्रदान जाल्लो वनस्पतीचो प्रकार

(ग) ''भूमीवंश'' म्हणल्यार पुरातन संस्कारीत प्रजाती जी प्राचीन शेतकामती आनी तांच्या उत्तराधिकाऱ्यांनी रुजयली.

२. राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण आनी राज्य जैवीक विविधताय मंडळां, हाणीं क्षेत्रीय अधिकारांत

आस्पावपी संसाधनांविशीं आनी तेसंबंदीच्या गिन्यानाविशीं खंयचोय निर्णय घेवचे पयली जैव विविधताय वेवस्थापन समिती कडेन सल्लोमसलत करची पडटली.

(३) जैवीक विविधताय वेवस्थापन समित्यांनी, आपल्या क्षेत्रीय अधिकारांतलें खंयचेंय जैवीक संसाधन, वेवसायीक उद्देशान एखादरे व्यक्तीन प्राप्त केल्लें आसत वा तांचो संग्रह केल्लो आसत जाल्यार ते व्यक्ती कडल्यान संग्रह-फी च्या रुपांत कर वसूल करूं येता.

## पाठ – ११

# थळावो जैवीक विविधताय निधी

**थळाव्या जैवीक विविधताय निधीक अनुदान**

**४२.** राज्य विधीमंडळाच्या कायद्यान, तेखातीर विनियोग केल्या उपरांत, राज्य सरकारान थळाव्या जैवीक विविधताय निधीक, अनुदान वा कर्ज स्वरुपांत ह्या कायद्याचे उपयोगिते खातीर, योग्य दिसता ती रक्कम दिवं येता.

**थळाव्या जैवीक विविधताय निधीची घडणावळ**

**४३.** (१) राज्य सरकारान अधिसूचीत केल्ले दरेके सुवातेचेर, जंय खंयचीय स्वराज संस्था कार्यरत आसा थंय, थळावो जैवीक विविधताय निधी ह्या नांवान निधी उबारतले आनी तातूंत सकयल दिल्ल्यो रकमो जमा करतले-

(क) अनुभाग - ४२ सकयल्लें खंयचेंय अनुदान आनी रीण;

(ख) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान दिल्लें खंयचेय अनुदान वा कर्ज;

(ग) राज्य जैवीक विविधताय मंडळान दिल्लें खंयचेंय अनुदान वा रीण;

(घ) जैवीक विविधताय वेवस्थापन समितीक अनुभाग ४१, उप-अनुभाग (३) वरवीं प्राप्त जाल्ली फी;

(ङ) राज्य सरकारान थारायिल्ले प्रमाण थळाव्या जैवीक विविधताय निधीक हेर मार्गांत प्राप्त जाल्ली सगले तरेची रक्कम

**४४.**(१)उप-अनुभाग (२) च्या तरतुदीचे अधीनतायेन, राज्य सरकार विहीत करतलें ते प्रमाण थळाव्या जैवीक विविधताय निधीचें वेवस्थापन आनी ताबो ,आनी त्याच कारणांखातीर ते निधीचो उपेग करचो पडटलो. **थळाव्या जैवीक विविधताय निधीचें उपयोजन**

(२)संबंदीत थळाव्या संस्थेच्या अधिकार-क्षेत्रांतआस्पाविल्ल्या जैवीक विविधतायेच्या संरक्षणांचे नदरेन सुसगत अशा समाजीक फायद्यां खातीर त्या निधीचो वापर करचो पडटलो.

**४५**.जे व्यक्तीकडेन थळाव्या जैवीक विविधताय निधीचो ताबो आसतलो,ताणें विहीत नमुन्यांत विहीत वेळाभितर फाटल्या अर्थीक वर्साच्या घडणुकांचो पुराय लेखा सादर करपी, दरेक अर्थीक वर्साचो वर्सुकी अहवाल तयार करचो पडटलो आनी संबंदीत थळावे संस्थेक ताची प्रत दिवची पडटली. **जैवीक विविधताय वेवस्थापन समितीचो वर्सुकी अहवाल**

**४६.**राज्याच्या महालेखा परिक्षका कडेन सल्लोमसलत करून, ताणें विहीत केल्ले प्रमाण, थळाव्या जैवीक विविधताय निधीचे हिशोब दवरचे पडटले  आनी तांचे लेंखा परिक्षण करचे पडटलें.थळावो जैवीक विविधताय निधी जे व्यक्तीच्या ताब्यांत आसतलें,ते व्यक्तीन संबंगदीत थळावे संस्थेक विहीत तारखेपयलीं लेंखा-परिक्षण केल्लया हिशोबाची प्रत, लेखा-परिक्षकाच्या अहवाला समत दिवची पडटली. **जैवीक विविधताय वेवस्थापन समितीचें लेंखा-परिक्षण**

**४७.**अनुभाग ४१च्या उप-अनुभाग (१) खाला जैवीक विविधताय निधी वेवस्था स्थापीत करपी दरेके थळावे संस्थेन, अनुभाग ४५ आनी ४६ खाला नमुद केल्ले प्रमाण, समितीच्या संदर्भातले वर्सुकी अहवाल, थळावी संस्था जाचे अखत्यारींत येता त्या जिल्लो-दंडाधिकाऱ्याक सादर करचें पडटले. **जैवीक विविधताय वेवस्थापन समितीचो वर्सुकी अहवाल आदी जिल्लो-दंडाधिकाऱ्याक सादर करप**

# पाठ १२

## संकीर्ण

**राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणाक केंद्र सरकाराच्यो मार्गदर्शक सुचोवण्यो बंधनकारक**

**४८.**(१) ह्या अनुभागातल्या तरतुदीक बाधा हाडिनासतना, राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणाचेर, ह्या अनुभाग सकलयची कार्यां आनी कर्तव्यां निभयता आसतना, ताच्या धोरणां विशीं केंद्र सरकारान वेळावेळार दिल्ल्यो लिखीत सुचोवण्यो बंधनकारक आसतल्योः

परंतु, ह्या उप-अनुभागाखाला अश्यो सुचोवण्यो दिवचे पयलीं, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाक ताची बाजु मांडपाची सद, शक्य आसत तितले प्रमाणांत दिवची पडतली.

(२) हे बाबतीतलो प्रस्न धोरणा विशींचो आसू वा नासूं, केंद्र सरकारचो निर्णय अंतीम आसतलो.

**??????**
**?????**

**४९.**(१)अनुभागांतल्या तरतुदींक बाधा हाडिनासताना, राज्य जैवीक विविधताय मंडळीचेर, ह्या कायद्यांतली कार्यां आनी कर्तव्यां निभायता आसताना, धोरणाच्या प्रस्नांविशीं राज्य सरकारान वेळावेळार दिल्ल्यो लिखीत सुचोवण्यो वंधनकारक आसतल्यो.

परंतु अश्यो सुचोवण्यो दिवचे पयलीं, राज्य जैवीक विविधताय मंडळाक, ताची बाजू मांडपाची,जमता तितली संद दिवची पडटली.

(२) हे बाबतीत, प्रस्न धोरणा विशींचो आंसू वा नासूं ,राज्य सरकारचो निर्णय अंतीम थारतालो.

**जैवी विविधताय मंडळातले विवाद मिटोवप**

**५०.**(१) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण आनी राज्य जैवीक विविधताय मंडळ ह्याचे मदीं निर्माण जाल्लो वाद, परिस्थिती आसत प्रमाण,प्राधिकरणान वा मंडळान विहीत कालावधींत केंद्र सरकारा कडेन अपील करचें पडटलें.

(२) उप-अनुभाग (१) खाला केल्लें प्रत्येक अपील, केंद्र सरकारान विहीत केल्ल्या नमुन्यांत (फॉर्म) आसचें पडटलें.

(३) तें अपील केंद्र सरकारान विहीत केल्ले पद्धतीन निकालांत काडचें पडटलें.

परंतु, सदरचें अपील निकालांत काडचे पयलीं-संबंदीत पक्षकारांक तांची बाजू मांडपाची फावो ती संद दिवची पडटली.

(४) जर राज्य जैवीक विविधताय मंडळा भितर वाद उप्राशिल्लो आसत, जाल्यार केंद्र सरकारान तो राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणा कडेन दिवचो पडटलो.

(५) उप-अनुभाग (४) खाला, खंयच्याय वादाचो निर्णय करता आसतना, राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणान सैमीक न्याय्य तत्त्वांचो, मार्गदर्शक सुचोवण्यो म्हण उपेग करचो पडटलो आनी सरकारान विहीत केल्ली पद्धत वापरची पडटली.

(६) राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाक, ह्या अनुभागांतली कार्यां करतना दिवाणी न्यायालयाक, दिवाणी **१९०८ चो ५** प्रक्रिया संहिता, १९०८ हे संहितेन सकयल दिल्ले बाबतींत जे अधिकार दिल्यात, ते अनुक्रमान सकयल मांडल्यातः-

(क) खंयचेय व्यक्तीन हाजीर रावपाचे नदरेन आपयी सोपूत घेवन जबानी दिवपाखातीर समन्स काडप;

(ख) एखाद्या दस्तावेजाचो तपास/शोध करून तो प्रस्तूत करप;

(ग) प्रतिज्ञापत्राचेर पुरावो/गवाय स्विकारप;

(घ) गवाय दिवप्याची जबानी घेवप आनी कागदपत्रां घेवंक अध्यादेश काडप;

(ङ) आपल्या निर्णयांची पुनर्नियाळ/फेरविचार करप;

(च) अर्जदाराचे गैरहाजिरींत अर्ज रद्द करप वा एकतर्फी निर्णय करप;

(छ) अर्ज रद्द करपाविशीं काडिल्लो आदेश वा एकतर्फी आदेश रद्द करप;

(ज) विहीत केल्लें हेर खंयचेय कार्य;

(७) भारतीय दंड संहिता अनुभाग १९३ आनी २२८ सकयल आनी अनुभाग १९६ खाला राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणा मुखार चलपी सगल्या कामकाजाक, न्यायालयीन कामकाज मानतले आनी दंड प्रक्रिया संहिता १९७३ पाठ २६ अनुभाग १९५ प्रमाण, राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणाक फौजदारी न्यायालय मानचें पडटलें.

१८६० चो ४५

१९७४ चो २

**राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरण आनी राज्य जैवीक विविधताय मंडळाच्या वांगड्याक, अधिकाऱ्यांक आदी लोक-सेवक मानप**

१८६० चो ४५

**५१.** राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरण वा राज्य जैवी विविधताय मंडळाचे सगले वांगडी, अधिकारी आनी कर्मचारी हांचे कार्य त्या अनुभागाचे तरतुदी खालच्या वा त्या स्वरुपाचें आसतलें तेन्ना तांका भारतीय दंड विधान संहिता अनुभाग २१ खाला लोक-सेवक मानतलें.

**अपील**

**५२.** राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरण वा राज्य जैवीक विविधताय मंडळाच्या लाबाच्या वांटणेच्या निर्णयाक वा हेर आदेशाक लागून बाधीत व्यक्तीन सदर निर्णयाची आनी आदेशाची खबर जाल्ले तारखे सावन तीस दिसां भितर, राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरण वा राज्य जैव विविधताय मंडळ, यथास्थिती हांच्या निर्णया आड वा आदेशा आड उच्च न्यायालयांत अपील करूं येता.

परंतु अपील करप्यान जाल्लो कळाव योग्य कारणां खातीर जालां, हे विशीं उच्च न्यायालयान ताच्या उपरांत लेगीत, पूण साठ दिसां भितर ते व्यक्तीक अपील दाखल करूंक परवागनी दिवं येता.

१) परंतु, हेविशीं कितेंय आसलें जाल्यार लेगीत, कार्यान्वीत राष्ट्रीय हरित न्यायालय अधिनियम, २०१० जाल्ल्या दिसा आनी त्या दिसाच्यान तें लागू जावचें ना.)

परंतु, तशेंच, राष्ट्रीय हरित न्यायासन अधिनियम, २०१० कार्यान्वीत जावपाच्या दिसा पयलीं, उच्च न्यायालयांत विचाराधीन आशिल्ल्या अपिलाचेर, राष्ट्रीय हरित न्यायासन अधिनियम, २०१० स्थापन जावंकच ना, अशें धरून, त्या अपिलाचेर उच्च न्यायालयांतच सुनावणी आनी निर्णय जातलों.

**राष्ट्रीय हरित न्यायालयाकडे अपील**

**५२.** (क) राष्ट्रीय हरित न्यायासन अधिनियम, २०१० चें कार्यान्वीत जावचें तारखेक वा तारखे उपरांत, राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणाच्या खंयच्याय निर्णयाक वा लाब-वांटणेक वा आदेशान बाधीत जाल्ले व्यक्तीन

राष्ट्रीय हरित न्यायासन अधिनियम, २०१० च्या अनुभाग (३) खाला, तातूंतल्या उपबंधां प्रमाण राष्ट्रीय हरित न्यायासना/ न्यायपीठाकडेन अपील दाखल करूं येता.

**५३.** राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणान व राज्य जैव विविधताय मंडळान ह्या अधिनियमांतल्या लाबांच्या हिश्श्यांविशीं निर्णय वा हेर तरेन आदेश दिल्लो आसत, वा राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरण वा राज्य जैव विविधताय मंडळाच्या आड वा आदेशाआड केल्ल्या अपिलांत उच्च न्यायालयान आदेश दिल्लो आसत, जाल्यार राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणाच्या वा राज्य जैव विविधताय मंडळाच्या अधिकाऱ्यान वा उच्च न्यायालयाच्या रजिस्ट्रारान परिस्थितीप्रमाण दिल्ल्या प्रमाणपत्राक दिवाणी न्यायालयाचो हुकूमनामो मानचो पडटलो आनी त्या प्रमाणपत्राची, दिवाणी न्यायालयाच्या हुकूमनाम्या प्रमाणच अंमलबजावणी करची पडटली.

*विस्कावणी*- ह्या अनुभागाखातीर तशेंच अनुभाग-५२ खातीर 'राज्य जैव विविधताय मंडळ' ह्या उतरांभितर, ज्या व्यक्तींक वा व्यक्तींच्या पंगडाक अनुभाग २२ च्या उप-अनुभाग (२) प्रमाण सकयल्ले अधिकार आनी कार्य त्याच उपअनुभागाच्या शर्तीभितर (परंतुकांत) दिलां. त्या व्यक्तीचो आनी व्यक्तींच्या पंगडांचो आस्पाव जाता आनी त्या व्यक्तींविशींचे आनी व्यक्तींच्या पंगडांविशींचें प्रमाणपत्र ते व्यक्तीन वा व्यक्तीच्या पंगडान परिस्थितीप्रमाण दिवचें पडटले.

**सद्हेतून घेतिल्ल्या निर्णयांचें रक्षण**

**५४.** ह्या अनुभागा सकयल्ले वा ह्या अधिनियमाच्या नेमांचे आनी निमयांचे अधीनतायेन, सद्भावनेन केल्ल्या वा करपाचो हेतू आशिल्ले खंयचेय कृतीविशीं केंद्र सरकार वा राज्य सरकार वा राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरण वा राज्य जैव विविधताय मंडळ हांचो खंयचोय वांगडी, अधिकारी वा कर्मचारी, हांचेआड खंयचोच दावो वा कायदेशीर कारवाय करपाक मेळची ना.

**दंड**

**५५.** (१) जी व्यक्ती अनुभाग ३ वा अनुभाग ४ वा अनुभाग ६ च्या तरतुदींचो भंग करतली वा भंग करपाचो यत्न करतली वा भंग करूंक प्रोत्साहन दितली, ती व्यक्ती पाच वर्सांमेरेनची बंदखण वा धा लाख मेरेनच्या दंडाक वा जाल्ली हानी धा लाखापरस चड आसल्यार, थंय हानी जाल्या तितल्या दंडाक वा दोनांकय पात्र थारतली.

(२) जी व्यक्ती अनुभाग ७ च्या तरतुदींचो वा अनुभाग २४ उप-अनुभाग (२) मदल्या आदेशांचो भंग करतली वा भंग करपाचो यत्न करतली वा भंग करूंक प्रोत्साहन दितली, ती व्यक्ती तीन वर्सांमेरेनची बंदखण वा पाच लाखां रुपयां मेरेनचो दंड वा दोनांकय पात्र थारतली.

**केंद्र सराकर, राज्य सरकार, राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरण आनी राज्य जैव विविधताय मंडळ हांच्या सुचोवण्यांचो वा आदेशांचो भंग केल्लेखातीर ख्यास्त**

**५६.** जर एखादरे व्यक्तीन, केंद्र सरकारान, राज्य सरकारान, राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणान वा राज्य जैव विविधताय मंडळान दिल्ल्या सुचोवण्यांचो भंग केलो जाल्यार, आनी जे खातीर ह्या अधिनियमा खाला स्वतंत्र ख्यास्तीची तरतूद केल्ली नासत जाल्यार, ती व्यक्ती एक लाख रुपयां मेरेनच्या दंडाक आनी गुन्यांव दुसरे फावट वा परतून परतून केल्यार, भंग चालू दवरिल्ले खातीर त्या दरेका भंगा खातीर दोन लाख रुपयां मेरेनच्या चडावत दंडाक पात्र थारतली.

**कंपनीन केल्ले गुन्यांव**

**५७.** (१) ह्या अधिनियमा सकयलच्या तरतूदींचो भंग अथवा गुन्यांव एखादरे कंपनीन केल्लो आसत जाल्यार, गुन्यांव वा भंग घडटना जी व्यक्ती अधिकाराचेर आशिल्ली वा जी व्यक्ती कंपनीच्या धंद्याक तेदेवेळार जापसालदार आशिल्ली, ती व्यक्ती आनी तेचप्रमाण कंपनी लेगीत त्या गुन्यांवाक वा भंगाक दोशी मानतले आनी तांचे आड कायदेशीर कारवाय जावन, ते प्रमाण ख्यास्तीक पात्र जातले.

परंतु, सदर व्यक्तीन, तो गुन्यांव वा भंग, अज्ञानान केल्ल्याचें वा ते व्यक्तीन तो गुन्यांव वा भंग घडचो न्हय म्हण फावो ती सगळी जतनाय घेतिल्ल्याचें सिद्ध केलें जाल्यार ती व्यक्ती ह्या उप-अनुभागा सकयल शिक्षेक पात्र जावचीना.

(२) वयल्या उप-अनुभाग (१) भितर कितेंय आसलें, तरी ह्या अधिनियमा सकयल्ल्या तरतुदींचो भंग वा गुन्यांव कंपनीन केल्लो आसत आनी एखादरो संचालक, वेवस्थापक, सचीव वा कंपनीच्या हेर अधिकाऱ्यांचे संमतीक वा तांच्या मौनाक लागून वा तो गुन्यांव वा भंग तांचे हलगर्जेक लागून घडिल्ल्याचे आरोप आसत, तेन्ना तो संचालक, वेवस्थापक, सचीव वा अधिकारी, त्या गुन्यांवाविशीं वा भंगाविशीं दोशी थारतलो आनी तो कायदेशीर कारवायेक आनी ते प्रमाण जावपी खास्तीक पात्र थारतलो.

*विस्कावणी*- ह्या अनुभागाच्या संदर्भांत-

(क) 'कंपनी' म्हणल्यार खंयचीय समूह संस्था, जिचेभितर फर्म (पेढी) वा हेर व्यक्तींचे संघटनेचो आस्पाव जाता; आनी

(ख) 'संचालक'- फार्माच्या संदर्भांतलो, म्हणल्यार त्या फार्मांतलो भागीदार

**दखलपात्र आनी अजामीनपात्र गुन्यांव**

**५८.** ह्या अधिनियमा सकयल्ले गुन्यांव दखलपात्र आनी अजामीनपात्र आसात.

**हेर कायद्यां खेरीज हो कायदो लागू**

**५९.** ह्या अधिनियमांतल्यो तरतुदी, रान वा रानजीव हांचेविशीं अस्तित्त्वात आशिल्ल्या कायद्यांच्या तरतुदीं खेरीज/भायर आसात, तांचें अवमुल्यन करपी न्हय.

**केंद्र सरकाराचे राज्य सरकाराक सुचोवण्यो दिवपाचे अधिकार**

**६०.** ह्या अधिनियमांतल्यो खंयच्योय तरतुदी, नियम वा उपनियम हांची राज्यांत अंमलबजावणी करपा खातीर केंद्र सरकारान राज्य सरकाराक सुचोवणी दिवं येता.

**गुन्यावांची दखल.**

**६१.** सकयल नमूद केल्ल्यो कागाळी सोडून, खंयच्याय न्यायालयाक ह्या अधिनियमा सकयल्ल्या गुन्यांवांची दखल घेवंक मेळची ना.

(क) केंद्र सरकारान व ते खातीर सरकारान अधिकृत केल्ले व्यक्तीन वा अधिकाऱ्यान केल्ली कागाळ; वा

(ख) केंद्र सरकाराक वा वयर नमूद केल्लेप्रमाण, तांणी अधिकृत केल्ल्या अधिकार मंडळाक वा अधिकाऱ्याक, त्या गुन्याविशीं विहीत नमुन्यांत, तीस दिसांची सुचोवणी दिवन, खंयच्याय लाब-दावेदारान केल्ली कागाळ.

**नियम करपाचो केंद्र सरकारचो अधिकार**

**६२.** (१) केंद्र सराकारन ह्या कायद्याच्या उद्देशा खातीर, राजपत्रांत अधिसुचोवणी उजवाडावन नियम करूं येतात.

(२) वयल्या अधिकाराक बाधा येना अशेतरेन, सकयल्ल्या सगळ्या वा खंयचेय गजाली खातीर नियम करूं येतात, अनुक्रमानः-

(क) अनुभाग ९ सकयल्ल्यो अध्यक्ष आनी वांगड्यांचे सेवेविशींच्यो अटी आनी शर्ती;

(ख) अनुभाग १० सरयल्ले अध्यक्षांचे अधिकार आनी कर्तव्यां

(ग) अनुभाग १२, उप-अनुभाग (१) खाला बसकेचें कामकाज चलोवपाचें पद्धती संदर्भांत;

(घ) अनुभाग १९, उप-अनुभाग (१) खाला कांय कार्यां करपाखातीर करपाच्या अर्जाचो नमुनो आनी घेवपाचे फी विशीं.

(ङ) अनुभाग १९, उप-अनुभाग (२) खाला करपाच्या अर्जाच्या नमुन्याविशीं;

(च) अनुभाग २०, उप-अनुभाग (२) खाला करपाच्या अर्जाचो नमुनो आनी जैवीक संसाधनांच्या वा ताचे संबंदीच्या माहितीच्या हस्तांतरणाचे पद्धती विशीं;

(छ) अनुभाग २८, उप-अनुभाग (२) खाला, राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणान खंयच्या नमुन्यात आनी खंयच्या वेळार दरेका अर्थीक वर्साचो वर्सुकी अहवाल तयार करचो आनी खंयचे तारखे पयलीं लेखा परिक्षीत हिशोबाची प्रत, लेखा-परिक्षकाच्या अहवालासयत दिवपाची, ते विशीं;

(ज) अनुभाग २९, उप- अनुभाग (१) खाला, हिशोबाच्या वर्सुकी अहवालाच्या तक्त्याचो नमुनो तयार करपाविशीं;

(झ) अनुभाग ५० खाला, ज्या वेळाभितर आनी ज्या नमुन्यांत अपील करपाविशीं, अपील निकालांत काडपाविशीं, निवाडो करपाचे पद्धतीविशीं;

(ञ) राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणान, चडावत गजालीं खातीर अनुभाग ५० च्या उप-अनुभाग (६) च्या उप-कलम (ज) खाला दिवाणी न्यायालयाचे अधिकार वापरूं येतात;

(ट) अनुभाग ६१, उप-कलम (ख) खाला नोटीस दिवपाच्या पद्धतीविशीं;

(ठ) विहीत करपाचो वा करूं येता वा जेविशीं नियमांनी तरतूद करपाची आसा अशा हेर खंयच्याय विशया विशीं

(३) ह्या अनुभागाखाला केल्लो प्रत्येक नियम आनी ह्या कायद्याखाला घेतिल्लो प्रत्येक थराव करतकीच रोखडोच संसदेच्या दरेका सभाघरामुखार, जेन्ना सभाघर तीस दिसांच्या सत्राखातीर आसतलें, जें सत्र सेगीत एकूच आसतलें वा दोन वा चड सेगीत सत्रांनी आसतलें आनी वयर नमूद केल्ले प्रमाण ते सत्र वा सेगीतचें दुसरें सत्र सोंपचे पयलीं, दोनूय सभाघरांनी ह्या नियमांनी वा थरावांनी सुदारणा करूंक मान्यताय दिल्ली आसत जाल्यार वा हो नेम वाथाराव रद्द करचो, अशें दोनूय सभाघरांनी मान्य केल्यार, हो नियम वा थराव फकत त्या दुरुस्ती-स्वरुपांतच कार्यान्वीत जातलो वा परिस्थिती प्रमाण, कार्यान्वीत जावचो ना. पूण ती दुरुस्ती वा रद्द करपाची कृती त्या नियमाखाला वा थरावाखाला ताचे आदीं केल्ले खंयचेच कृतीच्या कायदेशीरपणाक बाधा हाडिनासतना करची पडटली.

**राज्य सरकारचे नियम करपाचे अधिकार**

**६३.** (१) ह्या अधिनियमाच्या उद्दिश्टांखातीर, राज्य सरकारान राजपत्रांत अधिसूचीत करून नियम घडोवं येतात.

(२) खासा करून आनी हाचे पयलीं दिल्ल्या अधिकारांचे सर्वसामान्यतायेक बाधा हाडी नासतना, सकयल्ल्या सगळ्या वा तांचेमदले एखादरे गजाली खातीर नियम करूं येतात, अनुक्रमानः-

(क) अनुभाग २३, उप-कलम (१) खाला राज्य जैव विविधताय मंडळान करपाचीं हेर कार्यां;

(ख) अनुभाग २४, उप-अनुभाग (१) खाला पूर्व-सुचोवणी दिवपी खातीरचो नमुनो;

(ग) अनुभाग ३३ खाला तयार केल्लो दरेका अर्थीक वर्साच्या वर्सुकी अहवाल तयार करपाच्या वेळाविशीं आनी नमुन्याविशीं;

(घ) राज्य जैव विविधताय मंडळान हिशोब सांबाळपाची आनी लेखा-परिक्षण करपाची पद्धत आनी अनुभाग २४ खाला लेखा-परिक्षीत हिशोबाची प्रत, लेखा-परिक्षण अहवालासयत सादर करपाचें तारखेविशीं;

(ङ) अनुभाग ३७ खाला राष्ट्रीय वारसो-क्षेत्रांचें वेवस्थापन आनी संरक्षण हे विशीं;

(च) थळाव्या जैव विविधताय निधींचो ताबो आनी ताच्या वेवस्थापनाचे पद्धतीविशीं आनी तो निधी अनुभाग ४४, उप-अनुभाग (१) सकयल्ल्या वापराच्या उद्दिश्टांविशीं;

(छ) वर्सुकी अहवालाचें स्वरुप आनी अनुभाग ४५ खाला दरेका अर्थीक वर्सांत तो तयार करपाच्या वेळाविशीं;

(ज) थळाव्या जैव विविधताय निधीचे हिशोब सांबाळपाचे पद्धतीविशीं आनी लेखा-परिक्षीत करपाच्या आनी परिक्षीत हिशोबाची प्रत, लेखा-परिक्षकाच्या अहवाला सयत अनुभाग ४६ खाला सादर करपाचे तारखेविशीं;

(झ) हेर सगल्या खासा उल्लेख करपाच्या वा करूं येतात अशा गजालीं विशी.

(३) ह्या अनुभागाखाला, राज्य सरकारान तयार केल्ले नियम, तयार जातकीच रोखडेच राज्य विधीमंडळाच्या दोनय सभाघरांमुखार, जंय दोन सभाघरां आसात थंय आनी एकूच सभाघर आसत थंय ताचेमुखार मांडचे पडटले.

**नियमनां करपाचो अधिकार**

**६४.** राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणान केंद्र सरकारचे पूर्व-परवानगेन राजपत्रांत अधिसूचीत करून ह्या अधिनियमाच्या उद्दिशटांचे कार्यवाही खातीर थराव करचो पडटलो.

**आडखळी पयस करपाचो अधिकार**

**६५.** (१) ह्या अनुभागांतल्या तरतुदींचे अंमलबजावणेंत कितेंय आडखळ निर्माण जाल्यार, केंद्र सरकारान ह्या अधिनियमांच्या तरतुदीं कडेन विसंगत नाशिल्ल्या अशा आदेशा वरवीं ती आडखळ पयस करूं येता.

परंतु ह्या अधिनियमाच्या आरंभा उपरांत दोन वर्सांच्या कालावधी उपरांत असो खंयचोच आदेश काडपाक मेळचो ना.

(२) ह्या अनुभागाखाला काडिल्लो प्रत्येक आदेश, जारी जातकीच संसदेच्या दोनय सभाघरांमुखार दवरचो पडटलो.

**सुभाष सी. जैन**

सचिव, भारत सरकार

# जैविक विविधताय नेम -२००४

# पर्यावरण आनी रान मंत्रालय

# अधिसुचोवणी

नवी दिल्ली, १५ एप्रील, २००४

**जी.एस्.आर्.२६१ (ङ)-** जैवीक विविधताय अधिनियम,२००२, अनुभाग ६२ वरवीं प्रदान केल्ल्या अधिकारां धरून तशेंच राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण (अध्यक्ष आनी हेर वांगड्यांचे सेवेच्यो अटी, पगार आनी भत्ते) नेम, २००३ रद्द करून आनी ते रद्द करपाचे कृती पयलीं ज्यो गजाली केल्यात वा करपाच्यो सोडल्यात तांचो आडवाद सोडून, केंद्र सरकार सकयल दिल्ले नेम करताः-

**१. संक्षिप्त माथाळो आनी सुरवात**

(१) ह्या नेमांक जैवीक विविधताय नेम, २००४ म्हण पाचारतले.

(२) हे नेम १५ एप्रील,२००४ सावन अंमलात येतले.

**२. व्याख्या**

ह्या नेमां भितर, संदर्भाप्रमाण हेर कितेंय सूचीत करूंक नासलें जाल्यार-

(क) ‘अधिनियमम म्हणल्यार जैवीक विविधताय अधिनियम २००२ (२००३ चो १८)

(ख) ‘प्राधिकरण’ म्हणल्यार अनुभाग ८ च्या उप-अनुभाग (१) खाला थापणूक जाल्लें राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण.

(ग) ‘जैवीक विविधताय वेवस्थापन समिती’ म्हणल्यार अनुभाग ४१ व्या उप-अनुभाग (१) खाला थळावे संस्थेन स्थापन केल्ली जैवीक विविधताय वेवस्थापन समिती.

(घ) ‘अध्यक्ष’ म्हणल्यार राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाचो वा (यथास्थिती) राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचो अध्यक्ष

(ङ) ‘शुल्क(फी)’ म्हणल्यार अनुसूचयेंत नमूद केल्लें अटींप्रमाण शुल्क/फी.

(च) ‘फॉर्म (नमुनो)’ म्हणल्यार ह्या नेमांवांगडा परिशिश्टीत/जोडिल्लो फॉर्म/ नमुनो.

(छ) ‘वांगडी(सदस्य)’ म्हणल्यार राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण वा (यथास्थिती) राज्य जैवीक विविधताय मंडळाचो वांगडी(सदस्य) आनी तांतूत अध्यक्षाचोय आस्पाव जाता.

(ज) ‘अनुभाग’ म्हणल्यार अधिनियमाचो अनुभाग

(झ) 'सचीव' म्हणल्यार प्राधिकरणाचो पूर्ण-वेळ सचीव.

(त्र) ह्या नेमांनी जांचो वापर केला पूण व्याख्या करूंक ना आनी अधिनियमांनी केल्या अशा उतरांक आनी विधानांक अनुक्रमान अधिनियमांत नेमून दिल्लोच अर्थ आसतलो.

**३. अध्यक्षाचे निवडीचो आनी नेमणुकेची पद्धत**

(१) ह्या प्राधिकरणाचो अध्यक्ष केंद्र सरकार नेमतलें.

(२) उप-अनुभाग(१) खाला दरेका अध्यक्षाची नेमणूक प्रतिनियुक्तीचेर वा केंद्र सरकाराच्या भायल्यान वेंचून काडून जातली. ही नेमणूक प्रतिनियुक्तीचेर जावपाची आसत जाल्यार, अर्जदार भारत सरकाराच्या अतिरिक्त सचीवा परस उण्या दर्जाचो आसूंक फावना.

**४. अध्यक्षाचो अधिकार काळ**

(१) प्राधिकरणाचो अध्यक्ष तीन वर्सां पद धारण करतलो आनी तो पुनर्नेमणुकेक पात्र आसतलो.

(२) परंतु, खंयचोच अध्यक्ष, ताचे पिरायेचीं पासस्ट वर्सां पुराय जातकीच वा ताचो कार्यकाळ सोंपतकीच, जें पयली आसत तें, त्या उपरांत पद धारण करूंक येवचे ना.

(३) केंद्र सरकाराक कमीत कमी एक म्हयनो पयली सुचोवणी दिवन अध्यक्षान ताच्या पदाचो राजिनामो दिवं येता.

**५. अध्यक्षाचें वेतन आनी भत्तें:-**

(१) अध्यक्ष दरेका म्हयन्याक य२६,०००/- रकमेच्या निश्चीत वेतनाचो हक्कदार असतलो. जर एखादले सेवानिवृत्त व्यक्तीची अध्यक्ष म्हण नेमणूक जाली जाल्यार तिचें वेतन तर्शेंतरेच्या व्यक्तीखातीरच्या केंद्र सरकाराच्या आदेशाप्रमाण निश्चीत जातलें.

(२) केंद्र सरकारान वेळावेळर घेतिल्ल्या निर्णयाप्रमाण, अध्यक्षाक भत्ते, रजा, निवृत्ती-वेतन, भविश्य निर्वाह निधी, घर आनी हेर आंलायते भत्ते आदी मेळपाचो हक्क आसतलो.

## ६. बिन-सरकारी वांगड्यांचो अधिकार काळ आनी भत्ते

(१) प्राधिकरणाचो दरेकलो बिन-सरकारी वांगडी व्यक्ती, राजपत्रांत तिचे नेमणुकीचे उजडावणेचे तारखेसावन, एके फावटीक चडांत चड तीन वर्सांमिरेनच्या कार्यकाळाखातीर पद धारण करतली.

(२) प्राधिकरणाचे बसकेक हाजीर रावपी दरेके बिन-सरकारी व्यक्तीक, केंद्र सरकारचे आयोग वा समितीच्या वांगड्याक तशेतरेच्या आयोगाच्या वा समितीच्या बसकांक हाजीर रवतकीच मेळटात ते तरेन बसका-भत्ते, प्रवास-भत्ते, दीसपट्टे भत्ते आनी तशे तरेचे हेर भत्ते मेळपाचो हक्क असतलो.

## ७. बिन-सरकारी वांगड्यांच्यो रित्यो, सुवातो भरप

(१) प्राधिकरणाच्या बिन-सरकारी वांगड्यान केंद्र सरकाराक आपल्या हस्ताक्षरातल्या लिखीत पत्रावरवीं आपल्या पदाचो केन्नाय राजिनामो दिवं येता, आनी प्राधिकरणांतली ताची सुवात रिती जाता.

(२) तशेतरेन अचकीतपणान रिक्त जाल्ली प्राधिकरणातली बिन-सरकारी वांगड्याची रिती सुवात, एके नवे नामनिर्देशीत व्यक्तीन भरचें आनी अशें नामनिर्देशीत व्यक्तीक, जे व्यक्तीचे सुवातेर तिची नेमणूक जाल्या, ते व्यक्तीच्या उर्वरित कार्यकाळाखातीर तें पद धारण करचें.

## ८. प्राधिकरणाच्या वांगड्यांक पदावेल्यान काडून उडोवप

केंद्र सरकारान नियुक्त केल्ल्या खंयच्याय अधिकाऱ्या, जो भारत सरकाराच्या सचीवाच्या दर्जापरस उणो आसचोना, गरजेची आनी फावो ती चौकशी केले बगर आनी तशा वांगड्याक आपली बाजू मांडपाची योग्य ती संद दिलेबगर, प्राधिकरणाच्या खंयच्याय वांगड्याक अनुभाग ११ भीतर नमूद केल्ल्या खंयच्याय कारणांक लागून ताच्या पदावेल्यान काडून उडोवंक जायना.

## ९. प्राधिकरणाचो सचीव

(१) प्राधिकरण आपल्या सचिवाची नेमणूक करतलें.

(२) प्राधिकरण नियमांवरवीं सचिवाचे नेमणुकेच्यो अटी आनी शर्ती निश्चीत करतलें.

(३) प्राधिकरणाच्यो बसका आपोवप आनी तांचो समन्वय घडोवप, प्राधिकरणाच्या कामकाजाच्यो नोंदी दवरप तशेंच प्राधिकरणान ताका नेमून दिल्ली हेर कामां करूंक जापसाल आसलतो.

## १०. प्राधिकरणाच्यो बसका

(१) सर्वसादारणपणान तीन म्हयन्यांच्या काळा उपरांत, वर्साक उण्यांत उणें चार फावटीं प्राधिकरणाच्या मुख्यालयांत वा अध्यक्षान निश्चीत केल्ले अशें सुवातेचेर प्राधिकरणाची बसका जातली.

(२) प्राधिकरणाच्या उण्यांत उण्या पांच वांगड्यांच्या लिखीत विनवणेवेल्यान खाशेली बसका आपयतलो.

(३) बसकेचो हेतू, वेळ आनी थळ नमूद करून वांगड्यांक उण्यांत उणे पंदरा दीस पयली सामान्य बसकेची आनी उण्यांत उणें तीन दीस खाशेले बसकेची सुचोवणी दिवची पडटली.

(४) दरेके बसकेची येजमानकी अध्यक्ष चलयतलो आनी ताचे गैर हाजिरींत, उपस्थित आशिल्ल्या वांगड्यामदल्यान ताणीं वेंचून काडिल्लो अध्यक्षी अधिकारी बसकेची येजमानकी चलयतलो.

(५) प्राधिकरणाचे बसकेंतले निर्णय, गरज पडल्यार, हाजीर आशिल्ल्या वांगड्यांच्या निव्वळ मताधिक्यान आनी मतदानान घेवचे आनी अध्यक्षाक वा ताचे गैरहाजिरींत, येजमानकी चलोवपी वांगड्याक दुसरे वा निर्णायक मत आसतलें.

(६) दरेका वांगड्याक एक मत आसतले.

(७) प्राधिकरणाचे दरेके बसकेक उण्यांत उणी पांच गणसंख्या आसप गणपूर्तीखातीर गरजेचें आसतलें.

(८) अध्यक्षांनी आपल्या अधिकारांत परवानगी दिले बगर, खंयच्याच वांगड्यांक खंयचोच विशय, ताणें धा दिसांची सुचोवणी दिलेबगर बसके मुखार विचारार्थ दवरपाचो हक्क आसचो ना.

११. प्राधिकरणाकडल्यान जाणकार समितीची नेमणूक आनी तिचे हक्क

(१) प्राधिकरणान, आपल्याक योग्य दिसत अशा उद्देशांखातीर, पुर्णत्वान वांगड्यांच्यो वा पुरायपणान हेर व्यक्तींच्यो वा कांय वांगडी आनी कांय हेर व्यक्तींच्यो मेळून, अश्यो कितल्योय समित्यो स्थापीत करूं येतात.

(२) प्राधिकरणाचे वांगडी सोडून समितीच्या हेर वांगड्यांक, बसकेक हाजीर रावपाखातीर प्राधिकरणाक योग्य दिसता अशी रक्कम(फी) आनी भत्ते फारीक करचे पडटले.

१२. प्राधिकरणाची सर्वसादारण कार्यां

प्राधिकरणान सकयल दिल्लीं कार्यां करूं येतातः-

(i) अनुभाग ३,४ आनी ६ खाला नेमून दिल्ल्या उपक्रमांच्या प्रशासनाखातीर प्रक्रिया आनी मार्गदर्शक तत्वां घालून दिवप.

(ii) जैव विविधताय संवर्धनाकडेन संबंदीत कसलोय विशय, ताच्या घटकांचो स्वयंपोशक उपेग तशेंच जैवीक संसाधना आनी गिन्यानाच्या वापरांतल्यान निर्माण जाल्ल्या लाबांची न्याय्य आनी समभाग वाटणी हे विशीं केंद्र सरकाराक सल्लो दिवप.

(iii) राज्य जैवीक विविधताय मंडळांच्या उपक्रमांमदीं समन्वय/सुसूत्रताय घडोवप.

(iv) राज्य जैवीक विविधताय मंडळाक तंत्रीक सहाय्य आनी मार्गदर्शन करप

(v) अध्ययनां स्थापीत करप आनी नवसोद आनी संशोधनां पुरस्कृत करप.

(vi) प्राधिकरणाक ताचीं कर्तव्यां परिणामकारकतायेन पार करपाखातीर तंत्रीक पालव दिवपाचे नदरेन, तीन वर्सांपरस चड न्हय अशा निश्चीत काळाखातीर सल्लागार नेमप. परंतु तीन वर्सांपरस चड काळाखातीर सल्लागार नेमप गरजेचे आनी उपयुक्त आसत जाल्यार, तशे नेमणुके खातीर प्राधिकरणाक केंद्र सरकारची पूर्व-परवानगी घेवची पडटली.

(vii) जैव विविधतायेचें संवर्धन, तिच्या घटकांचो स्वयंपोशक वापर आनी जैवीक संसाधनां आनी गिन्यान हांच्या वापराक लागून प्राप्त जाल्ल्या लाबांची न्याय्य आनी समभाग वांटणी/विभाजन हांचे विशींची तंत्रीक आनी सांख्यिकी माहिती, पुस्तिका, संहिता आनी मार्गदर्शकां एकठांय करप, संकलीत करप आनी उजवाडावप.

(viii) जैव विविधतायेचे संवर्धन, तिच्या घटकांचो स्वयंपोशक उपेग तशेंच जैवीक संसाधनां आनी गिन्यान हांच्या वापरांतल्यान प्राप्त लाबाची न्याय्य आनी समभाग वांटणी/विभाजन हांचे संबंदातल्यो सर्वसमावेशक कार्यावळी प्रसार माध्यमां वरवीं आयोजीत करप.

(ix) जैव विविधतायेचें संवर्धन आनी तिच्या घटकांचो स्वयंपोशक उपेग हांचे खातीरच्या कार्यावळींनी योगदान दिल्ल्या वा दिवंक सोदपी कर्मचाऱ्यांक प्रशिक्षणाची येवजण करप आनी राबोवप.

(x) स्वताची प्राप्ती आनी तेच वांगडा केंद्र सरकाराचें अवमुल्यन हांचो आस्पाव करून प्राधिकरणाचे अंदाजपत्रक तयार करप. परंतु केंद्र सरकारची विभागणी केंद्र सरकारान मान्यताय दिल्ल्या अंदाजपत्रकी तरतुदीं प्रमाणच करप गरजेचें

(xi) प्राधिकरणाची कार्यां परिणामकारकतायेन घडपाचे नदरेन, केंद्र सरकाराक पदां/सुवातो निर्माण करपाची शिफारस करप आनी कायमस्वरुपी/तात्पुरतीं वा हेर खंयच्याय स्वरुपाचीं पदां आसली तरीं तीं केंद्र सरकाराचे पूर्व-परवानगेच निर्माण करप.

(xii) प्राधिकरणाच्या अधिकाऱ्याची आनी कर्मचाऱ्याची भरती करपाची पद्धतीक मान्यताय दिवप.

(xiii) माहिती-संच निर्माण करपाखातीर तशेंच जैवीक संसाधनां आनी संलग्न परंपरीक गिन्यान हांचे परिणामकारक वेवस्थापन, संवर्धन तशेंच स्वयंपोशक उपेग जाता हांची खात्री करपाचे नदरेन, जैव-विविधताय नोंद-चोपड्यो(रजिस्टर्स) आनी इलॅक्ट्रॉनीक माहिती-संच हांचेवरवीं तांची माहितीची आनी दस्तावेजीकरणाची वेवस्था निर्माण करप.

(xiv) ह्या अधिनियमाचे परिणामकारक अंमलबजावणेखातीर लिखीत रुपांत राज्य जैवीक विविधताय मंडळांक तशेंच जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांक निर्देश करप.

(xv) प्राधिकारिणीच्या कार्यांविशीं आनी अधिनियमाचे अंमलबजावणेविशीं केंद्र सरकाराक कवीत करप/अहवाल धाडप.

(xvi) जैवीक संसाधनांच्या संदर्भांतल्या अनुभाग ६च्या उप-अनुभाग (१) खालाच्या लाब-विभाजनाची संकलन आनी अनुभाग १९ च्या उप-अनुभाग (२) खालाच्या प्राप्ती हिश्श्यांतले बदल हांचेविशीं वेळावेळार शिफारस करप आनी दुरुस्ती करप.

(xvii) विशिश्ट उद्देशां खातीर राज्य जैवीक-विविधताय मंडळांक आनी जैवीक-विवधताय वेवस्थापन समित्यांक पालव-अनुदान आनी अनुदानां मंजूर करप.

(xviii) अधिनियमाचे अंमलबजावणे संदर्भांत खंयच्याय वाठाराक प्रत्यक्ष भेटी घडोवन हाडप.

(xix) भारतांत निर्माण जाल्ल्या खंयच्याय जैवीक संसाधनाचो आनी संबंदीत गिन्यानाचो, बुद्धीक संपदा हक्क, बेकायदेशीरपणान भारताभायल्या खंयच्याय देशाक मंजूर जावपाक विरोध करपाचे नदरेन, कायदो-तज्ञांचे नेमणुकेसयत गरजेचे उपाय करप.

(xx) केंद्र सरकारान वेळावेळार नेमून दिल्लीं वा निर्देश केल्लीं तशेंतरेंचीं हेर कार्यां करप.

१३. अध्यक्षाचे अधिकार आनी कर्तव्यां

(१) प्राधिकरणाच्या दीसपट्ट्या उपक्रमांचेर एकंदरीत नियंत्रण दवरपाचो अधिकार अध्यक्षांक आसतलो.

(२) अनुभाग १० च्या तरतुदींच्या अधीन, प्राधिकरणाच्या अधिकाऱ्यांचे आनी कर्मचाऱ्यांचेर सर्वसामान्य देखरेख करपाचे तशेंच प्राधिकरणाच्या कामकाजाचें संचालन आनी वेवस्थापन हांचेखातीर गरजेचे निर्देश जारी करपाचो अधिकार अध्यक्षाक आसतलो.

(३) प्राधिकरणाची गोपनीय कागदपत्रां आनी नोंदी हांचो ताबो अध्यक्षाकडेन आसतलो आनी तांचे सुरक्षितततायेची जापसालकी ताचेकडेन आसतली.

(४) प्राधिकरणान जारी केल्ले सगले आदेश आनी सुचोवण्यो हांचेर अध्यक्षांची वा ताचे वतीन ताणें अधिकृत केल्ल्या हेर अधिकाऱ्याची निशाणी आसतली.

(५) मान्यतायप्राप्त अंदाजपत्रका प्रमाण देय-रक्कम मंजूर करपाचो आनी वितरीत करपाचो अधिकार अध्यक्षाक वा ताणें ह्या कामाखातीर अधिकृत केल्ल्या अधिकाऱ्याक आसतलो.

(६) सगल्या अंदाजपत्रकी खर्चाक प्रशासकी आनी तंत्रीक मंजुरी दिवपाचे पुराय अधिकार अध्यक्षालागीं आसतले.

(७) प्राधिकरणाच्यो सगल्यो बसका अध्यक्ष आपयतलो आनी तांची येजमानकी चलयतलो तशेंच प्राधिकारिणीन घेतिल्ल्यां सगल्या निर्णयांची योग्य ते तरेन अंमलबजावणी जातली, हाची खात्री करतलो.

(८) अध्यक्ष प्राधिकारिणीन वा केंद्र सरकारान ताका वेळावेळार प्रदान केल्ले हेर सगले अधिकार वापरतलो तशेंच हेर सगली कार्यां करतलो.

१४. जैवीक संसाधनां आनी संबंदीत परंपरीक गिन्यान प्राप्त करपाची/ वापराची प्रक्रिया

(१) संशोधना खातीर वा वेपारी/वेवसायीक उपेगाखातीर जैवीक संसाधनांचो आनी संबंदीत गिन्यानाचो वापर करूंक सोदपी वक्तीन प्राधिकरणाची मान्यताय मेळोवपाचे नदरेन फॉर्म १ वरवीं अर्ज करूंक जाय.

(२) उप-नेम(१) सकयल्ल्या दरेका अर्जावांगडा,धा हजार रुपयांचे फीचो प्राधिकरणाच्या नावांर काढिल्लो चॅक वा डिमांड ड्राफ्ट जोडचो पडटलो.

(३) संबंदीत थळाव्या संस्थांकडेन सल्लोमसलत करून तशेंच अर्जदार आनी हेर स्त्रोतांकडल्यान गरजेची दिशिल्ली अशी आलायती माहिती एकठांय करून, अर्ज प्राप्त जाल्ल्याचे तारखेसावन स म्हयन्यांच्या काळाभितर, जाता तितले बेगीन प्राधिकरणान त्या अर्जाचेर निर्णय घेवचो पडटलो.

(४) अर्जाचे गुणवत्तेविंशीं समादान जातकीच, प्राधिकरणान आपणांक योग्य दिसता अश्यो अटी आनी शर्ती लादून, जैवीक संसाधना आनी संबंदीत गिन्यान प्राप्त करपाक/वापरपाक मान्यताय मंजुरी दिवं येता.

(५) प्राधिकरणाचो अधिकृत अधिकारी आनी अर्जदार हांचेमदीं जाल्ल्या एका लिखीत समजिकाय-कराराच्या रुपांत ही मान्यताय आसतली.

(६) उप-नेम(५) भितर उल्लेख केल्लो समजिकाय-कराराचो फॉर्म प्राधिकरणान तयार केल्लो आसचो पडटलो आनी तातूंत सकयल दिल्ल्या गजालींचो आस्पाव आसचो पडटलोः

(i) मंजुरी मान्यताय मेळोवंक सोदची अर्जाचे सर्वसादारण उद्देश आनी हेतू

(ii) जैवीक संसाधनां आनी संबंदीत माहिती आस्पावासयत परंपरीक गिन्यानाचें विवरण.

(iii) जैवीक संसाधनांचे नियोजीत/प्रस्तावीत उपेग (संशोधन, प्रजनन, वेवसायीक वापर आदी)

(iv) अर्जदार बुद्धीक संपदा हक्क मागता त्यो अटी.

(v) अर्थीक आनी हेर अनुशंगीक लाबांचे प्रमाण खासाकरून जर जैवीक सामुग्री सुरवेक संशोधन-उद्दिश्टां खातीर वापरिल्ली आसत आनी उपरांत वेवसायीक उपेगां खातीर वापरपाचें चिंतिल्ले आसल्यार तशेंच तिच्या उपेगांत उपरांत कसलोय बदल करपाचो आसल्यार, तेखातीर, गरज पडल्यार नवो करार करपाची वचनबद्धताय.

(iv) प्राप्त जैवीक संसाधनां आनी परंपरीक गिन्यान एका तिसऱ्या पक्षाक, प्राधिकरमाचे पूर्व मान्यतायेबगर हस्तांतरीत करपा खातीरचे निर्बंध.

(vii) ज्या जैवीक संसाधनांच्या वापरा खातीर अर्जदार मान्यताय मागता, त्या जैवीक संसाधनांचें परिणाम आनी गुणवत्तेची निश्चिती हांचेविशींच्या प्राधिकरणाच्या मर्यादांक खरपणान लागी रावप.

(viii) वापराखातीर परवानगी मागिल्ल्या जैवीक संसाधनांचे, संदर्भीत नमुने, अनुभाग ३९ त उल्लेख केल्ल्या संग्रहालयांत दवरपाची हमी.

(ix) संशोधन आनी हेर विकास-कार्यांचो नियमीत सद्यस्थिती अहवाल प्राधिकरणाक सादर करप.

(x) ह्या अधिनियमाच्या आनी नेमांच्या तरतुदींक तशेंच देशांत चलणुकेंत आशिल्ल्या संबदीत हेर कायद्यांक पाळो दिवपाची वचनबद्धताय.

(xi) प्राप्त/विनियोग केल्ल्या जैवीक संसाधनांचे संवर्धन आनी स्वयंपोशक उपेग हांचेखातीरच्या उपाय-येवजण्यांक गती दिवपाची वचनबद्धताय.

(xii) संकलन कृतीक लागून पर्यावरणाचेर जावपी परिणाम उण्यांत उणो करपाची वचनबद्धताय.

(xiii) कराराचो कालावधी, करार रद्द करपाची सुचोवणी, दरेका उप-कलमाची स्वतंत्र अंमलबजावणेची पात्रताय, करार रद्द जातकीच लेगीत लाब-विभागणेचें कलम अस्तित्वांत उरपाच्या दायित्वाची तरतूद, जापसालकी मर्यादीत करपी घडणुको (सैमीक आपत्ती), लवाद, खंयचेंय गोपनियतेचें कलम ह्या सारक्यो कायदेशीर तरतुदी-

(७) जैवीक संसाधनांचो वापर करूंक परवानगी दितना, तातूंत मुखेलपणान त्या संसाधनांचे संवर्धन आनी राखण करपाच्या उपाय-येवजण्यांच्या अटींची तरतूद आसची.

(८) एखादली विनवणी मान्य करप शक्य ना अशें दिसलें जाल्यार, ते खातीरच्या कारणांची लिखीत नोंद करून प्राधिकरणान तो अर्ज भायर उडोवं येता.

(९) अर्जदाराक ताची बाजू मांडपाची फावो ती संद दिलेबगर, खंयचोच अर्ज भायर उडोवंक जायना.

(१०) आपणें दिल्ल्या मंजुऱ्यांची प्राधिकरणान छापील तशेंच इलॅक्ट्रोनीक माध्यमांवरवीं व्यापक प्रसिद्धी दिवपाखातीर पावलां उबारूंक जाय आनी मंजुरी दिल्ल्या उपक्रमांवरवीं अटींची पुर्तताय जाता वा ना ताची नेमान देखरेख करूंक जांय.

१५. वापर वा मान्यताय नामंजुरी

(१) खंयचेय कागाळेचेर आदारून वा आपूण जावन, नेम १५ खाला दिल्ली मंजुरी काडून घेवं येता आनी सकयल दिल्ल्या अटीखाला लिखीत करार नामंजूर करूं येताः

(I) मान्यताय दिल्ले व्यक्तीन अधिनियमाचे खंयचोय तरतूदीचो वा मान्यताय मंजूर केल्ले अटीचो भंग/उल्लंघन केला अशें रास्तपमान दिसलें जाल्यार.

(II) मान्यताय दिल्ले व्यक्तीक करारांतले अटीची पुर्तताय करूंक अपेस आयिल्लें आसल्यार

(III) वापर करपाचे मंजुरेंतचे खंयचेय अटीची पूर्तताय करूंक अपेस आयिल्लें आसल्यार

(IV) भौशीक हीत वा पर्यावरण संरक्षण आनी जैवीक विविधतायेचें संवर्धन हांचेकडेन आडनदर केल्ली आसल्यार

(२) आपणें नामंजूर केल्ल्या/रद्द केल्ल्या दरेकां आदेशाची एक प्रत प्राधिकरणान वापराचेर बंदी हाडपाखातीर तशेंच जाल्लें कसलेय हानी/लुकसाणाची मोलावणी करपाखातीर आनी ती भरून काडपाचे नदरेन पावलां उबारपाखातीर, संबंदीत राज्य जैवीक विविधताय मंडळाक आनी जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांक धाडची पडटली.

१६. जैवीक संसाधनांच्या वापराकडेन संबंदीत उपक्रमांचेर निर्बंध

(१) सकयल दिल्ल्या कारणांखातीर हें प्राधिकरण, ताका तें गरजेचें आनी योग्य दिसलें जाल्यार जैवीक संसाधनांच्या वापराखातीरचे विनवणेचेर निर्बंध घालपाचे नदरेन वा प्रतिबंध करपाचे नदरेन पावलां उबारतलेंः

(i) जर वापराखातीरची विनवणी धोको आशिल्ल्या संजातीविशीं आसल्यार

(ii) जर वापराखातीरची विनवणी खंयच्याय थळाव्या आनी दुर्मिळ प्रजातीविशीं आसल्यार

(iii) जर वापराखातीरचे विनवणेक लागून थळाव्या लोकांच्या उदरनिर्वाहाचेर विपरित परिणाम जावपाची शक्यताय आसल्यार

(iv) जर वापराखातीरचे विनवणेक लागून पर्यावरणाचेर नियंत्रण करूंक आनी सौम्य करूंक कठीण असो विपरीत परिणाम जावपाची शक्यताय आसल्यार

(v) जर वापराखातीरची विनवणेक लागून जानुकी-ऱ्हास जावपाची वा परिस्थितीकीच्या कार्याचेर विपरीत परिणाम जावपाची शक्यताय आसल्यार

(vi) संसाधनांचो वापर राष्ट्रीय हिताच्या आनी भारतान करारबद्ध केल्ल्या हेर संबंदीत आंतरराश्ट्रीय कबलातींच्या विपरीत आसल्यार.

१७. संशोधनाचे निश्कर्श हस्तांतरीत करपाखातीर घेवपाचे मान्यतायेखातीरची प्रक्रिया

(१) भारतांतल्या जैवीक संसाधनांच्या संदर्भातल्या संशोधनाचे निश्कर्श अर्थीक फायद्याच्या उद्देसान परदेशी नागरीक, कंपन्यो आनी अनिवासी भारतीयांक हस्तांतरीत करूंक इत्सूक खंयचेय व्यक्तीन, फॉर्म २ वरवीं प्राधिकरणाक अर्ज करचो पडटलो.

(२) उप-नेम(१) खाला सादर जावपी दरेका अर्जावांगडा, प्राधिकरणाच्या नांवाचेर काडिल्लो, पाच हजार रुपयांचे फीचो चॅक वा डिमांड ड्राफ्ट जोडिल्लो आसचो पडटलो.

(३) उप-नेम(१) खाला सादर जाल्ल्या अर्जाचेर प्राधिकरणान तो प्राप्त जाल्ले तारखेसावन तीन म्हयन्यां भितर, जाता तितले बेगीन निर्णय करचो पडटलो.

(४) अर्जदारान सगल्या अटीची पुर्तताय केल्या हेविशी समादान जातकीच, आपणाक योग्य दिसत अश्यो अटी आनी शर्तीं लादून तांचे अधीनतायेन, संशोधनाचे निश्कर्श हस्तांतरित करपाक प्राधिकरणान मान्यताय दिवं यता.

(५) हस्तातरणाची मान्यताय, अर्जदार आनी प्राधिकरणाच्या प्राधिकत अधिकार्यानी निशाणी केल्ल्या एका लिखीत कराराच्या रुपांत आसची पडटली. कराराचो नमुनो प्राधिकरणान तयार केल्लो आसतलो.

(६) एखादऱ्या अर्जाक मान्यताय दिवंक येना अशें प्राधिकरणाक दिसल्यार, तांची कारणां लिखित रुपांत नोंद करुन प्राधिकरणान तो अर्ज भायर उडोवं येता. परंतु अर्जदाराक ताची बाजू मांडपाची फावो ती संद दिलेबगर अर्ज भायर मारुंक येवचोना.

१८. बुद्धीक संपदा संरक्षणाखातीर अर्ज करचे पयलींची पूर्व-परवानगी घेवचे खातीरची प्रक्रिया

(१) भारतांतल्यान प्राप्त जैवीक सामुग्रीचेर आनी गिन्यानाच्या संशोधनाचेर आदारीत कसलीय स्वामित्व संपदा वा स्वामित्व हक्क हांचेखातीर अर्ज करूंक खंयचेय इत्सूक व्यक्तीन, फॉर्म २ वरवीं अर्ज करचो पडटलो.

(२) उप-नेम(१) खाला सादर जाल्ल्या दरेका अर्जावांगडा पाचशें रुपया फी फारीक केल्ली आसची पडटली.

(३) अर्जाची फावो ती मोलावणी करून आनी हेर खंयचीय अतिरिक्त माहिती एकठांय करून, गुणवत्तेच्या आदाराचेर, अर्ज प्राप्त जाल्ले तारखेसावन तीन म्हयन्यांच्या काळाभितर, जाता तितले बेगीन, प्राधिकरणान त्या अर्जाचेर विचार करचो पडटलो.

(४) अर्जदारान गरजेच्यो सगल्यो गजाली पुराय केल्यात हाची खात्री जातकीच, स्वामित्व हक्काखातीर वा हेर कसल्याय बुद्धीक संपदा हक्का खातीर अर्ज करूंक, ताका योग्य दिसत अश्यो अटी आनी शर्ती लादून, तांचे अधीनतायेन प्राधिकरणान मान्यताय दिवं येता.

(५) हस्तातरणाची मान्यताय, अर्जदार आनी प्राधिकरणाच्या प्राधिकत अधिकार्यानी निशाणी केल्ल्या एका लिखीत कराराच्या रुपांत आसची पडटली. कराराचो नमुनो प्राधिकरणान तयार केल्लो आसतलो.

(६) एखादन्या अर्जाक मान्यताय दिवंक येना अशें प्राधिकरणाक दिसल्यार, तांची कारणां लिखित रुपांत नोंद करुन प्राधिकरणान तो अर्ज भायर उडोवं येता. परंतु अर्जदाराक ताची बाजू मांडपाची फावो ती संद दिलेबगर अर्ज भायर मारुंक येवचोना.

१९. अनुभाग २० च्या उप-अनुभाग(२) खाला तृतीय-पक्षीय हस्तांतरमा खातीरची प्रक्रिया

(१) ज्या व्यक्तींक, जैवीक संसाधनांचो आनी संबंदीत गिन्यानाचो जाल्या, आनी जे मंजुरीप्राप्त जैवीक संसाधन वा गिन्यान हेर खंयचेय व्यक्तीक वा संस्थेक हस्तांतरीत करूंक सोदतात, ताणीं प्राधिकरणाक फॉर्म ४ वरवीं अर्ज करचो पडटलो.

(२) उप-नेम(१) खाला सादर जावपी दरेका अर्जावांगडा, प्राधिकणाच्या नांवाचेर काडिल्ल्या बँक-ड्राफ्ट वा चॅकाच्या रुपांतली धा हजार रुपयांची फी, जोडची पडटली.

(३) प्राधिकरणान हेर कसलीय अतिरिक्त माहिती एकठांय करतकीच अर्ज प्राप्त जाल्ल्याच्या तीन म्हयन्यांभितर, जाता तितले बेगीन, अर्जाचेर निर्णय करचो पडटलो.

(४) अर्जदारान गरजेच्यो सगल्यो गजाली पुराय केल्यात हेविशीं समादान जातकीच, आपणाक योग्य दिशिल्ल्यो अश्यो अटी आनी शर्ती लादून, तांचे अधीनतायेन प्राधिकरणान तृतीय-पक्षीय हस्तांतरणा खातीर मान्यताय दिवं येता.

(५) उप-नेम(४) खाला, प्राधिकरणाचो प्राधिकृत अधिकारी आनी अर्जदार हाणीं निशाणी केल्ल्या कराराच्या रुपांत ही मान्यताय आसची पडटली. कराराचो नमुनो प्राधिकरणान रचिल्लो आसतलो.

(६) प्रस्तूत विनवणी मान्य करीसारकी ना अशें दिसलें जाल्यार, ताचीं कारणां लिखीत रुपांत नोंद करून, प्राधिकरणान तो अर्ज भायर मारूं येता, परंतू अर्जदाराक आपली बाजू मांडपाची संद दिलेबगर खंयचोच अर्ज भायर मारूंक येवचो ना.

२०. लाबाच्या समभाग विभाजनाचे निकश (अनुभाग २१)

(१) राजपत्रांत उडवाडायिल्ले एके अधिसुचोवणे वरवीं प्राधिकरण मार्गदर्शन सुचोवण्यो निर्धारीत करतलें तशेंच लाबाच्या समभाग विभाजनाचे पद्धतीची विस्कावणी करतलें.

(२) मार्गदर्शक सुचोवण्यां भितर अर्थीक तशेंच प्राप्ती-हिस्सो, संयुक्त-उपक्रम, तंत्रज्ञान-हस्तांतरण, उत्पादन विकास, शिक्षण आनी जागृतायवर्धक उपक्रम, संस्थांतर्गत क्षमताय उदरगत आनी उपक्रम भांडवल निधी अशा हेर लाबांची तरतूद आसची पडटली.

(३) लाब-समभाग विभाजनाची पद्धत दरेके बाबीप्रमाण थारावची पडटली.

(४) जैवीक संसाधनां आनी सहयोगी गिन्यान हांचो वापर वा संशोधन-निश्कर्शांचें हस्तांतरण वा स्वामित्व हक्क आनी बुद्धीक संपदा हक्क हांचे खातीरचो अर्ज वा तृतीय-पक्षीय हस्तांतरण, हांचे बाबतींत खंयचेय व्यक्तीक मान्यताय मंजूर करतना, प्राप्त जैवीक सामुग्री आनी संबंदीत गिन्यान हांच्या उपेगांक लागून निर्माण जावपी लाबांच्या समभाग विभाजनाची खात्री करपाचे नदरेन, प्राधिकरणान अटी आनी शर्ती लादूं येतात.

(५) लाबाचें परिणाम तर्शेतरेचें मान्यताये खातीर अर्ज करपी व्यक्ती आनी प्राधिकरण, हांणी थळाव्यो संस्था, लाब दावेदार हांचे कडेन सल्लोमसलत करून दोशीं वटेनचे मान्यतायेन थारावचें पडटलें आनी विनियोगाचे निश्चीत केल्ले मानदंड, वापराचें प्रमाण, स्वयंपोशकतायेचो दिश्टीकोन, प्रभाव आनी निश्कर्शाचे अपेक्षीत स्तर हांचेसयत जैवीक विविधतायेचें संवर्धन आनी सम्यक वापर हांचेखातीरच्यो उपाय-येवजण्यो, हांच्या आस्पावासयत ते थारावं येता.

(६) दरेके बाबीप्रमाण, लघु, मध्यम आनी दीर्घ कालीन लाब-विभाजन मुल्यांकना खातीर प्राधिकरणान एक समय-सारिणी निर्धारीत करची पडटली.

(७) लाबाक लागून जैवीक विविधतायेच्या संरक्षणाची आनी स्वयंपोशक विनियोगाची खात्री जावंक जाय अशें निर्धारण प्राधिकरणानं करूंक जाय.

(८) जंय जैवीक संसाधना आनी गिन्यानाचो एके विशिश्ट व्यक्ती वा व्यक्तींचो समूह वा संस्थां कडल्यान वापर जाता, तेन्ना तांकां दिवपाची थरिल्ली रक्कम जिल्लो प्रशासनावरवीं थेट फारीक जावची हे खातीर प्राधिकरणान पावलां उबारूं येतात. जेन्ना अशी व्यक्ती वा व्यक्तीसमूह वा संघटना निश्चीत करूंक येनात, तेन्ना अर्थीक लाबाची रक्कम राष्ट्रीय जैवीक विवधताय मंडळाच्या निधींत जमा जातलो.

(९) प्राप्त लाबाच्या पाच टक्के रक्कम प्राधिकरणाखातीर वा मंडळाखातीर, यथास्थिती, प्रशासकी आनी सेवा प्रभारांखातीर राखून दवरची पडटली.

(१०) उप-नेम(४) खाला निर्धारीत केल्लेप्रमाण, आनी प्राधिकरणान थारायिल्ले पद्धतान, प्राधिकरण लाबांच्या प्रवाहाचेर देखरेख दवरतलें.

२१. राष्ट्रीय जैवीक-विविधताय निधीचो वापर

(१) राष्ट्रीय जैव-विविधताय निधीचो विनियोग अध्यक्षावरवीं वा हे विशयात प्राधिकृत केल्ल्या तशा हेर अधिकाऱ्या वरवीं जातलो.

(२) केंद्र सरकारा कडल्यान जाल्ली प्राप्त आनी प्राधिकारिणीक प्राप्त फी, परवानो फी, प्राप्ती हिस्सो आनी हेर प्राप्ती अशे दोन स्वतंत्र लेखा-माथाळे आसतले.

२२. जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांचें गठन/घडणावळ

(१) दरेक थळावी संस्था आपापले अधिकारारितेंत/कार्यकक्षेंत/अखत्यारींत एक जैव-विविधताय वेवस्थापन समिती स्थापीत करतली. (जैवेस)

(२) उप-नेम(१) खाला गठीत केल्ले जैव-विविधताय वेवस्थापन समितींत, अध्यक्ष आनी थळावे संस्थेन मानांकन केल्ल्यो चडात चड स व्यक्तीं आसतल्यो, जातुंतल्यो उण्यांत उण्यो एक तृतियांश महिला आनी उण्यांत उण्यो १८% अनुसूचीत जाती/जमातींतल्यो आसच्यो पडटल्यो.

(३) थळावे संस्थेच्या अध्यक्षाचे येजमानके खाला जाल्ले एके बसकेंत, समितीच्या वांगड्यांमदल्यान एकाची जैव विविधताय वेवस्थापन समितीचो अध्यक्ष म्हण निवड जातली. बराबरी जाल्ली आसत जाल्यार थळावे संस्थेच्या अध्यक्षाक निर्णायक मत दिवपाचो अधिकार आसतलो.

(४) जैव-विविधताय वेवस्थापन समितीच्या अध्यक्षाचो कार्यकाळ तीन वर्सांचो आसतलो.

(५) समिचीच्या बसकांक थळावो आमदार/विधान-परिषदेचो वांगडी आनी खासदार खाशेल्ले निमंत्रीत आसतले.

(६) थळाव्या लोकांकडेन सल्लोमसलत करून ''लोक जैवविविताय रजिस्टर'' तयार करप हें 'जैवेस'चें मुखेल कार्य आसा. ह्या रजिस्टरांत (नोंद-पटींत) जैवीक संसाधनांची उपलब्धताय आनी गिन्यान, तांचे वैजकी वा हेर कसलेय उपेग तशेंच तांचेकडेन संबंदीत हेर कसलेंय परंपरीक गिन्यान हांचेविशींचे सर्वसमावेशक माहितीचो आस्पाव आसूंक जाय.

(७) थळावे वैज आनी जैव संसाधनांचो वापर करपी हेर वेवसायीक हांचेविशींची माहिती (आकडेवारी) दवरप तशेंच तिचेकडेन राज्य जैव-विविधताय मंडळ वा प्राधिकरण हांणी धाडिल्ल्या मान्यताय अर्जांचेर सल्लो दिवप हीं 'जैवेस'ची हेर कार्यां आसतलीं.

(८) लोक जैव-विविधताय रजिस्टरांचो नमुनो निश्चीत करप, तातुंतल्या तपशीलाचें स्वरुप तशेंच इलॅक्ट्रॉनिक डेटाबेजा(माहितीसंच) खातीर नमुनो तयार करप हांचेखातीर प्राधिकरणान पावलां उबारचीं पडटलीं.

(९) 'लोक जैव-विविधताय रजिस्टर' घडोवपांत प्राधिकरणान आनी राज्य जैव-विविधताय मंडळान, जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांक मार्गदर्शन करतली आनी तंत्रीक-पालव दिवचें पडटले.

(१०) लोक जैव विविधताय रजिस्टर आनी सत्यपडताळणी जैव-विविधताय वेवस्थापन समित्यांनी करची पडटली.

(११) जैव-संसाधनां आनी परंपरीक गिन्यानाच्या वापराक दिल्ल्यो मंजुऱ्यो, लादिल्ले एकठावणी फीचे तपशील तशेंच प्राप्त जाल्ले लाब आनी तांचे विभागणेचे प्रकार हांचे तपशील हांचेविशीं माहिती दिवप एक रजिस्टर लेगीत समितीन तयार दवरचो पडटलो.

२३. अनुभाग ५० खाला वाद/विवाद मिटोवपाखातीर अपील-

(१) खंयचोय आदेश, वा मार्गदर्शक सुचोवणी वा धोरणात्मक निर्णयाची खंयचीय बाब हांचे अंमलबजावणेविशीं, प्राधिकरण आनी राज्य जैव-विविधताय मंडळ वा दोन मंडळां मदीं वाद उप्रासलो जाल्यार, व्यथीत पक्षान, म्हणल्यार प्राधिकरण वा मंडळान, यथास्थिती, अनुभाग(५) खाला, फॉर्म ५ वरवीं सचिव, पर्यावरण आनी रान मंत्रालय, भारत सरकार हांच्या नांवान केंद्र सरकाराक आपील सादर करूं येता.

(२) जर एक राज्य जैव-विविधताय मंडळ आनी दुसरें/जायते राज्य जैव-विविधताय मंडळ हांचे मदीं वाद उप्रसल्यार व्यथीत मंडळान वा मंडळांनी, केंद्र सरकाराक वादाचो/वादाचे मुद्दे कळीत करचे पडटले, आनी केंद्र सरकाराक ते प्राधिकरणाक धाडचे पडटले.

(३) अपिलाच्या निवेदनांत, त्या वादाची सत्यस्थिती अपील जे खातीर केलां आनी न्याय/सूट मागल्या ताचे आदारभूत मुद्‌दे मांडचे पडटले.

(४) अपिलाच्या निवेदनासयत, जाका लागून अपीलदार व्यथीत जाला त्या आदेशाची, मार्गदर्शक सुचोवणेची वा धोरणात्मक निर्णयाची, यथास्थिती अधिकृत प्रत जोडची पडटली, आनी अपिलाचेर अपीलदाराच्या प्राधिकृत प्रतिनिधीची निशाणी आसची पडटली.

(५) सदोश असो दावो केल्लो आदेश, मार्गदर्शक सुचोवणी वा धोरणात्मक निर्णय जारी जाल्ल्याच्या ३० दिसांभितर, पोंचपावती आशिल्ल्या रजिस्टर्ड पोस्टान वा व्यक्तिशः अपिलाच्या निवेजनाच्यो चार प्रती सादर करच्यो पडटल्यो. परंतू अपील सादर करूंक जाल्लो कळाव योग्य आनी सबळ कारणांक लागून जाला हांचेविशीं केंद्र सरकार समादानी आसलें जाल्यार तेविशींच्या कारणांची लिखीत नोंद करून, ३० दिसां उपरांत सादर केल्लें पूण विवादीच आदेश, मार्गदर्शक सुचोवणी वा धोरणात्मक निर्णयाच्या यथास्थिती ४५ दिसांभितर, तें अपील दाखल करून घेवपाची परवानगी केंद्र सरकारान दिवं येता.

(६) अपिलाचे सुनावणेची सुचोवणी फॉर्म ६ वरवीं पोचपावती अशिल्ल्या रजिस्टर्ड पोस्टान दिवची पडटली.

(७) अपीलदार आनी हेर पक्षकार हांच्यो बाजू आयकून घेतकीच केंद्र सरकारन तें अपील निकालांत काडचें पडटलें.

(८) निकाल दिता आसतना ताच्यान विवादीत आदेश, मार्गदर्शक सुचोवणी वा धोरणात्मक निर्णयांत, यथास्थिती, बदल, दुरुस्ती करूं येता वा तो रद्द करूं येता.

(९) विवादाचो निवाडो दितना नैसर्गीक न्याय तत्वाचो अवलंब प्राधिकरणान करपाक जाय आनी केंद्र सरकारान ह्या नेमाखाला पाळो दिवप गरजेचें आसा, तेच प्रक्रियेत शक्य जायत तोमेरेन, प्राधिकरणान पाळो दिवंक जाय.

२४. अनुभाग ६१ खाला सुचोवणी धाडपाची पद्धत

(१) अनुभाग (६१)च्या उप-कलम(ख) खाला सुचोवणी धाडपाची पद्धत अशी आसाः

(i) सुचोवणी फॉर्म-७ वरवीं लिखीत रुपांत धाडची पडटली.

(ii) सुचोवणी धाडपी व्यक्तीन ती ः-

(क) कथीत गुन्यांव केंद्र-शासीत प्रदेशांत धाडिल्लो आसल्यार-अध्यक्ष, राष्ट्रीय जैव-विविधताय प्राधिकरण हांचेकडेन धाडची आनी

(ख) कथीत गुन्यांव राज्यांत धाडिल्लो आसल्यार अध्यक्ष, राज्य जैव-विविधताय मंडळ हांचेकडेन धाडची.

(२) उप-नेम(१) भितर उल्लेख केल्ली सुचोवणी पोंचपावती आशिल्ल्या टपालान धाडची आनी

(३) उप-नेम(१) भितर उल्लेख केल्ल्या, प्राधिकरणाक सुचोवणी प्राप्त जाल्ले तारखेसावन अनुभाग ६१च्या उप-कलम (ख) भितर उल्लेख केल्लो, तीस दिसांचो कालावधी मेजचो पडटलो.

# फॉम १

## (पाळ्यात नेम १४)

जैवीक संसाधनां आनी संबंदीत परंपरीक गिन्यानाचो वापर करपा खातीर अर्जाचो नमुनो.

भाग क

१. अर्जदाराचो पुराय तपशील

(i) नांव : ------------ -------------- --------

(ii) कायमचो नामो : ------------------------

(iii) भारतांत संपर्काखातीर व्यक्ती/एजंट, आसल्यार, ताचो नामोः

(iv) संस्थेविशीं पुराय माहिती (अर्जदार एक व्यक्ती आसल्यार ताची व्यक्तीगत माहिती) खरेंपण सिद्ध करपी दस्तावेज उपकार करून जोडचेः

(v) वेवसायाचें स्वरुपः

(vi) संस्थेची अर्थीक उलाढाल (यू.एस्.$)

२. वापर करपाच्या गिन्यानाच्या स्वरुपाविशींचे आनी वापर करपाची जैवीक सामुग्री तशेंच, संलग्न गिन्यानाचे तपशील आनी खाशेली माहिती.

क) जैवीक संसाधनांची वळख (शास्त्रीय नांव) आनी तांचो परंपरीक उपेग :

ख) प्रस्तावीत संकलनाचें भुगोलीक थळः

ग) परंपरीक गिन्यानाचें विवरण/स्वरुप (मौखीक/दस्तावेजीकृत)ः

घ) परंपरीक गिन्यान आशिल्ली एखादरी ज्ञात व्यक्ती/समाजगट

ङ) संकलीत करपाच्या जैवीक संसाधनाचें प्रमाण (वेळापत्रक दिवचें)ः

च) जैवीक संसाधनां संकलीत करपाचो प्रस्तावीत कालावधीः

छ) निवड करपाखातीर कंपनीन अधिकृत केल्ले व्यक्तीचें नांव आनी क्रमांकः

ज) संशोधनाचो प्रकार आनी प्रमाण, प्राप्त वा प्राप्त जावपाची अपेक्षा आशिल्लो वेवसायिक उपेग/वापर हांचेसयत गिन्यानाचो वापर करूंक अर्ज करपाचो उद्देश :

झ) संकलनाक लागून जैवीक विविधतायेचो खंयचोय घटक नामशेश/नश्ट जातलो व्हय? त्या गिन्यानाचो वापर केल्ल्यान निर्माण जावपी संभाव्य धोके/जोखिमोः

३. संशोधन आनी विकास उपक्रमांनी वांटेकार जावपी एखादरे राष्ट्रीय संस्थेचे तपशीलः

४. प्राप्त जाल्ली संसाधानां व्हरपाचें प्राथमिक थळ तशेंच संशोधन आनी विकास (सं.वि.) घडोवन हाडटले ती सुवात/थळ.

५. प्रस्तूत संसाधनां आनी गिन्यान हांच्या वापरांतल्यान प्राप्त जाल्ले बुद्धीक संपदा/हक्क (बुसंह), आनी स्वामित्व हक्क हांकालागून निर्माण जाल्ल्या लाबांसयत अर्जदाराकडेन वा ताच्या/तिच्या देशाकडेन सहजतायेन चलत येवपी वा अपेक्षित अर्थीक वा हेर लाब.

६. जैवीक संसाधना तशेंच गिन्यान हांच्या वापराक लागून प्राप्त जावपी, अर्जदाराकडेन वा ताच्या/तिच्या देशाकडेन चलत येवपी वा अपेक्षीत जैवतकनिकी, विज्ञानीक, समाजीक वा हेर खंयचेय तरेचे लाब.

७. जैवसंसाधनां आनी परंपरीक गिन्यान हांच्या वापराक लागून भारत/समाजघटकां मेरेन चलत येवपी लाबांची/फायद्यांची अदमास-उत्तावणी.

८. लाब-वांटणेची प्रस्तावीत पद्धत आनी वेवस्था.

९. संबध्द अशी हेर माहिती.

# भाग ख

## जाहीर घोशणा

हांव/आमी अशें जाहीर करतां/करतातः

- जैवीक संसाधनांच्या प्रस्तावीत संकलनाक लागून त्या संसाधनांचे स्वयंपोशकतायेचेर कसलोच विपरीत परिणाम जावचो ना.
- जैवीक संसाधनांच्या प्रस्तावीत संकलनाक लागून कसलेच पर्यावरणीय परिणाम जावंक पावचे नात.
- जैवीक संसाधनांच्या प्रस्तावीत संकलनाक लागून परिस्थितीकी-वेवस्थेक कसलोच धोको/जोखीम निर्माण जावची ना.
- जैवीक संसाधनांच्या प्रस्तावीत संकलनाचो थळाव्या समाज-गटाचेर कसलोच विपरीत परिणाम जावंक पावचो ना.

हांव/आमी अशें जाहीर करतात, ह्या अर्जावरवीं सादर केल्ली माहिती खरी आनी बरोबर आसा आनी खंयचेय तरेचे फट/चुकीचे माहितीखातीर हांव/आमी जापसालदार आसतले.

निशाणीः<br>
नांव :<br>
पदः

# फॉर्म २

## (नियम १७ पळयात)

**वेवसायीक/वेपारी उपेगाखातीर संशोधनाचे निश्कर्श परदेशी व्यक्ती, संस्था, अनिवासी भारतीय हांका हस्तांतरीत करपा खातीर राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणा कडल्यान घेवपाचे पूर्व-परवानगेचो अर्ज.**

१. अर्जदाराची पुराय माहिती

i) नांव :

ii) नामो :

iii) वेवसायाची माहिती/विवरण :

iv) संस्थेकडली संलग्नताय (उपकार करून खरेंपण सिद्ध करपी संबद्ध दस्तावेज जोडचे) :

२. संशोधनांतल्यान मेळिल्ल्या निश्कर्शांचे तपशीलः

३. संशोधनांत वापरिल्ल्या जैवीक संसाधनांचो आनी/वा ते संबंदीच्या गिन्यानाचो तपशील

४. संशोधनांत वापरिल्लीं जैवीक संसाधनां जंयच्यान एकठांय केल्यांत/संकलीत केल्यांत तें भुगोलीक थळ.

५. संशोधनांत वापरिल्ले एखादरे परंपरीक गिन्यानाचे तपशील, तशेंच एखादरी व्यक्ती/समाजगट जाचेकडेन परंपरीक गिन्यान आशिल्ल्याचें दिश्टी पडलां, तांचे तपशील.

६. जे संस्थेंत सं. आ. वि. (संशोधन आनी विकास) संदर्भांतलें काम केल्लां ते संस्थेचो तपशील.

७. संशोधनाचे निश्कर्श हस्तांतरीत करपाचें चिंतलां ते व्यक्तीचें/संस्थेचे तपशील.

८. हस्तांतरीत संशोधन निश्कर्शांच्या वेवसायीकरणाक/वेपारीकरणाक लागून व्यक्ती/संस्थेक जातले अशे चिंतिल्ल्या वा तिचेकडेन सहजपणान चलून येवपी अर्थीक, जैव-तकनिकी, विज्ञानिक वा हेर तरेच्या लाबांचो तपशील.

९. संसाधन निश्कर्शांच्या हस्तांतरणाखातीर मान्यताय मागपी अर्जदाराक जातले अशें चिंतिल्ल्या वा ताचेकडेन सहजतायेन चलत येवपी अर्थीक, जैव-तकनिकी, विज्ञानिक वा हेर लाबांचो तपशील.

१०. संशोधन निश्कर्शांच्या हस्तांतरणाखातीर मान्यताय मागपी अर्जदार आनी प्रस्तावीत प्राप्तकर्तो हांचेमदी कसलोय करार वा समाजिकायेची कबलात जाल्ली आसत जाल्यार तिचे तपशील.

## जाहीर घोशणा

हांव/आमी अशें जाहीर करतात, ह्या अर्जावरवीं सादर केल्ली माहिती खरी आनी बरोबर आसा आनी खंयचेय तरेचे फट/चुकीचे माहितीखातीर हांव/आमी जापसालदार आसतले.

निशाणीः

नांवः

पदः

थळ :

तारीख :

# फॉर्म ३

## (नियम १८ पळयात)

बुद्धीक संपदा हक्कां(बुसंह)खातीर अर्ज करपाचे नदरेन राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाची पूर्व-मान्यताय मेळोवपाखातीर अर्ज

१. अर्जदाराचो पुराय तपशील
   (i) नांव :
   (ii) नामो :
   (iii) वेवसायिक माहिती/विवरणः
   (iv) संस्थेकडली संलग्नताय (उपकार करून खरेंपण सिद्ध करपी संबद्ध दस्तावेज जोडचे) :

२. ज्या सोदांखातीर बु.सं. ह. मागूंक सोदता त्या सोदाचे तपशीलः

३. सोद-वावरांत वापरिल्लीं जैव-संसाधनां आनी/वा तेसंबंदीच्या गिन्यानाचो तपशील.

४. सोद-वावरांत वापरिल्लीं जैव-संसाधनां जंयच्यान एकठांय केल्यांत तें भूगोलीक थळ.

५. सोद-वावरांत वापरिल्ले एखादरे परंपरिक गिन्यानाचे तपशील, तशेंच एखादरी व्यक्ती/समाजगट जाचेकडेन परंपरीक गिन्यान आशिल्ल्याचें दिश्टी पडलां, तांचे तपशील.

६. जे संस्थेंत सोद-वावर केला ते संस्थेचो तपशील.

७. सोदाच्या वेवसायीकरणाक/वेपारीकरणाक लागून व्यक्ती/संस्थेक जातले अशें चिंतिल्ल्या वा तिचेकडेन सहजतायेन चलत येवपी अर्थीक, जैव-तकनिकी, विज्ञानीक वा हेर लाबांचो तपशील.

# जाहीर घोशणा

हांव/आमी अशें जाहीर करतां/करतात, ह्या अर्जावरवीं सादर केल्ली माहिती खरी आनी बरोबर आसा आनी खंयचेय तरेचे फट/चुकीचे माहितीखातीर हांव/आमी जापसालदार आसतले.

निशाणीः
नांवः
पदः

थळः
तारीखः

# फॉर्म ४

## (नियम १९ पळयात)

**प्राप्त जैवीक संसाधनां आनी ते संबंदीचें परंपरीक गिन्यान एके तिसरेच व्यक्तीक/पक्षाक हस्तांतरीत करपाखातीर राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरणाची पूर्व-परवानगी मागपी अर्ज**

१. अर्जदाराचे पुराय तपशीलः

(i) नांव :

(ii) नामो :

(iii) वेवसायीक माहिती/विवरण :

(iv) संस्थेकडली संलग्नताय (उपकार करून खरेंपण सिद्ध करपी संबद्ध दस्तावेज जोडचें)

२. प्राप्त केल्ली जैवीक-सामुग्री आनी परंपरीक गिन्यान हांचे तपशीलः

३. करारबद्ध जाल्ल्या प्राप्ती-कराराचे तपशील (प्रत जोडप गरजेचें)

४. लाब आनी हाचेआदींच राबयिल्ली लाब-विभाजनाखातीरची यंत्रणा/पद्धत

५. प्राप्त सामुग्री/गिन्यान जाका हस्तांतरीत करपाचें चिंतलां त्या तिसऱ्या पक्षाचे पुराय तपशील.

६. तिसरे व्यक्तीक/पक्षाक हस्तांतरण करपाचो हेतू

७. प्राप्त जैवीक सामुग्री आनी गिन्यान हांच्या हस्तांतरणाक लागून ते तिसरे व्यक्तीक/पक्षाक जातलें अशें चिंतील्ल्या वा सहजतायेन चलत येवपी अर्थीक, समाजीक, जैव-तकनिकी, विज्ञानीक वा हेर लाबांचो तपशील.

८. अर्जदार आनी तिसरी व्यक्ती/पक्ष हांचेमदीं जाल्ल्या कराराचे तपशील.

९. प्राप्त जैवीक संसाधनां आनी परंपरीक गिन्यान हांच्या तिसरे व्यक्तीक/पक्षाक केल्ल्या हस्तांतरणाक लागून भारताक/ समाजगटाक जावपी संभाव्य लाबांचें अदमाशी प्रमाण.

१०. तिसरो पक्षीय हस्तांरणाक लागून निर्माण जाल्लो लाब विभाजीत करपाची (वांटून घेवपाची) प्रस्तावीत यंत्रणा आनी वेवस्था.

११. हेर कसलीय संबद्ध माहिती.

## जाहीर घोशणा

हांव/आमी अशें जाहीर करतां/करतात, ह्या अर्जावरवीं सादर केल्ली माहिती खरी आनी बरोबर आसा आनी कसलेय तरेचे फट आनी चुकीचे माहितीखातीर आमी जापसालदार आसतले.

निशाणीः

नांव ः

पदः

थळः

तारीखः

# फॉर्म ५

## (नियम–२३(१) पळयात)

## अपिलाच्या निवेदनपत्राचो फॉर्म

**________, पर्यावरण आनी रान मंत्रालय, नवी दिल्ली**

**वा**

**राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकारिणी**

(यथास्थिती) हांचे सामकार

**(जैवीक विविधताय अधिनियम, २००२ च्या अनुभाग ५० खाला अपिलाचें निवेदनपत्र)**

**२००- चें अपील क्रमांक ________**

__________

__________

__________अपील करपी (एक वा चड)

विरुद्ध

__________

__________

__________प्रतिवादी (एक वा चड)

(हांगा प्राधिकरण/मंडळ हांच्या अधिकाराचो हुद्दो/पद बरोवचें)

प्रतिवादीन---- तारखेक जारी केल्ल्या आदेशाआड, सकयल दिल्ल्या वस्तुस्थिती आनी फाटभुंयेचेर/आदाराचेर अपील करपी (अपीलदार), अपिलाचें हें निवेदनपत्र सादर करपाची विनवणी करता.

१. वस्तुस्थिती/तथ्यां

हांगा हे बाबतींतली वस्तुस्थिती थोडेभितर भेटोवची.

२. फाटभूंय/आदार

हें अपील जिचेर आदारलां ते फाटभूंयेची विस्कावणी मांडची.

(i)

(ii)

(iii)

३. अपेक्षीत सूट/सवलत/मेकळीक

(i)

(ii)

(iii)

४. विनवणी

क) वयर दिल्ले मुद्दे मतींत घेवन, प्रतिवाद्यान दिल्लो आदेश/निर्णय रद्द करचो वा कुशीक दवरचो, अशी नमळायेची विनवणी अपीलदार करता.

ख) प्रतिवाद्यान लागू केल्लें धोरण/मार्गदर्शक सुचोवणी/नियमन मर्यादिमेरेन रद्द/दुरुस्त/खारीत करचें.

------------------------

ग) ------------------

अपीलदाराची निशाणी

शिक्को

नामोः

थळः

तारीखः

## सत्यप्रमाणांकन

हांव, अपीलदार हाचेवरवीं घोशीत करतां, वयर दिल्लें निवेदन म्हजे माहितीप्रमाण आनी विस्वासाप्रमाण खरें आसा.
------ दिसा------- वर्सा प्रमाणीत केलां.

अपीलदाराची निशाणी
शिक्को
नामोः

अपीलदाराच्या अधिकृत प्रतिनिधीची निशाणी

जोडण्योः १) आदेश/मार्गदर्शक सुचोवणी/धोरणात्मक निर्णय, जाचेआड हें अपील केलां, ताची प्रमाणीत प्रत.

## फॉर्म ६

(नियम २३(६) पळयात)

------, पर्यावरण आनी रान मंत्रालय, नवी दिल्ली हांचे

वा

राष्ट्रीय जैवीक विविधताय प्राधिकरण

हांचे सामकार

(यथास्थिती)

२००-चें अपील क्र. ------

-----------

-----------अपील करपी (एक वा चड)

विरुद्ध

-----------

-----------प्रतिवादी (एक वा चड)

हांचे मदीं

# सुचोवणी

उपकार करून नोंद घेवची, अपीलदारान वयलें अपील आदेश/ मार्गदर्शक कलम/धोरणात्मक निर्णय (तपशील दिवचे) हाचे आड सादर केलां आनी ताची सुनावणी ता. ------- दिसा ------ वरांचेर नियोजीत केल्या.

अपिलाच्या निवेदनपत्राच्यो प्रती तशेंच अपिलावांगडा जोडिल्लीं हेर कागदपत्रां तुमचे माहिती खातीर वांगडा धाडल्यांत.

अपिलाचे सुनावणेचे तारखेक वा ताचे उपरांतचे सुनावणेचे तारखेक प्रतिवादी म्हण तुमी हाजीर रावले नात, जाल्यार त्या अपिलाचेर एकतर्फी अंतिम निर्णय जातलो, हाची उपकार करून नोंद घेवची.

अपील करप्याचे वतीन
निशाणी करपी

अधिकृत अधिकारी

(शिक्को)

तारीखः-----

थळः------

फॉर्म ७

सुचोवणेचो फॉर्म

(नियम २४(१) पळयात)

रजिस्टर्ड पोस्टान/पोंचपावती टपालान

धाडपी

श्री.-----------

-------------

-------------

प्रति,

---------------

---------------

---------------

विशयः जैवीक विविधताय अधिनियम, २००२ च्या अनुभाग ६१ (ख) खाला सुचोवणी.

१) जे अर्थी ---------------------------------------- कडल्यान जैवीक विविधताय अधिनियम, २००२ खाला गुन्यांव घडला/घडटा.

२. हांव/आमी जैवीक विविधताय अधिनियम, २००२ च्या अनुभाग ६१(ब) खाला, ------चे आड जैवीक विविधताय अधिनियम,२००२ चे तरतुदीचो भंग केल्लेखातीर न्यायालयांत कागाळ दाखल करपाचो म्हजो/आमचो हेतू आशिल्ल्याची ३० दिसांची सुचोवणी दितां/दितात.

३. म्हजे/आमचे सुचोवणेक आधार म्हण हांव/आमी सकयल दिल्ले दस्तावेज/पुरावे जोडटां/जोडटात.

थळः

तारीखः

निशाणीः

स्पश्टीकरण/विस्कावणीः
१) कंपनीच्या नांवान सुचोवणी दिवपाची आसल्यार कंपनीचे वतीन निशाणी करपाचो अधिकार आशिल्ले व्यक्तीक दिल्ले पुराव्याचे दस्तावेज ते सुचोवणे वांगडा जोडप गरजेचें.
२) आरोपीत गुन्यांवकाराचें नांव आनी नामो दिवचो. प्राधिकारिणीचे मान्यतायेबगर जैवीक संसाधन/गिन्यान/संशोधन/जैव-सर्वेक्षण आनी जैव-विनियोग/बुद्धीक संपदा हक्क/स्वामित्व हक्क (पेटंट) वापरिल्लो आसत जाल्यार ताचे तपशील तशेंच कसलोय वेवसायीक/वेपारी उपेग केल्लो आसत जाल्यार ताचे तपशील भेटोवचो.
३) आरोपीत भंग/गुन्यांव हांची चौकशी करप शक्य जावचें म्हण दिल्ल्या, पुरावो-दस्तवेजां भितर फोटो, तंत्रीक अहवाल आदींचो आस्पाव जावचो.

(क्र. जे- २२०१८/५७/२००२ - सीएस्सी (बीसी))
देश दीपक वर्मा, जोड सचीव.